प्रस्नचिन्नां ? ?

सासणाचीं...

- अजय ज्यो. बुवा

प्रस्नचिन्नां सासणाचीं

एकांकिका संग्रह

अजय ज्यो. बुवा (आप्पा बुवा)

प्रस्नचिन्नां सासणाचीं

एकांकिका संग्रह

अजय ज्यो. बुवा (आप्पा बुवा)

© मेनका अ. बुवा

प्रकाशन क्र. २

२०१२

उजवाडावपीः

महांरुद्र प्रकाशन
एस - ३, रिश्वा रॅजिडॅन्सी,
कला मंदिरा फाटल्यान,
दुर्गाभाट, फोंडें - गोंय.
maharudrabooks@rediffmail.com

अक्षरजुळोवणी

सौ. रुचा सुशांत नायक
शांताई अपार्टमॅण्ट
कवळें, फोंडें - गोंय.
9049599090

छापणावळः

Dream Solution
No. 5, Second Floor,
Fonseca Arcade
Tisk, Ponda – Goa.
Phone No. 9637366757

मोलः ८५/-

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या 'साहित्य प्रभा'
हे येवजणे खाला छांपलां.

रामनमी दिसा
मारुतीच्या देवळा मुखार
नाटकां जावपी वाळपयचे माचयेक
नमळायेन

एकांकिका आनी हांव

म्हजो आजो सर्गेस्त गुंडोजी जाधव हो खानापूर बेळगाव ह्या भागांत नामनेचे नाट्य दिग्दर्शक आशिल्लो. अजुनूय लोक थंय ताची याद काडटात. घडये ताची पुण्याय म्हजेर पडली आनी ल्हानपणा सावन हाव नाटका कडेन आकर्शीत जायत रावलों. सुटयेंत मामागेर वतालों तेन्ना पांयपेटयेचो आवाज आयकलो की हांव पिसो जातालों. पेटयेच्या त्या स्वरांनी हांव समाधिस्त जातालों. ल्हान आसतना एकलोच कुडी भितर हांव शिवाजी, कृष्ण, औरगाजेब, अर्जून, भीम सगळे 'रोल' करतालों. वाळपय रामनमीक मारुतीच्या देवळा मुखार नाटकां जातालीं. दोन सामाजीक आनी एक इतहासीक. पुराय वर्सभर हांव नाटकांची वाट पळोवप. मणेरकाराचे चाळी भितर नाटकाच्यो तालमी दोन - दोन म्हयने पयलीं रंगताल्यो. त्यो येसायो चोरून पळोवप, नाटकांत काम करपी त्या नाट्य कलाकारांचो धेंगसो सोंसप, पूण येसाय पळोवपाचें सोडप ना. म्हाका चडशे संवाद तेन्ना पाट जाताले आनी मागीर नाटका दिसा हांव म्हजे कुशीक बशिल्ल्याक ते संवाद पयलींच म्हणून दाखयतालों. लोकूय म्हजे कडेन कवतुकान पळयताले. म्हाका दिसतालें, ल्हान भुरग्याचो रोल म्हाका दिवचो. पूण ते म्हज्या नाशिबांत नासतालें. तीं नाटकां फकत वैश्य (वाणी) समाजा पुरतींच मर्यादीत आसतालीं. तांच्याच भुरग्यांनी 'पार्ट' करप आमी फकत ताळ्यो मारप. म्हजे भितरल्या कलाकाराचो अपमान म्हज्या बालमनाक स्पष्ट जाणवतालो. पूण हांव तो मोन्यानी सोसतालों. नाटकाच्या मळार मोठें काम करप हें हांवें ल्हान आसतनाच थारायिल्लें. नाटकाच्या प्रांगणांत म्हजें नांव लोकांनी अभिमानान घेवपाक जाय. वाळपयचे जे रंगमाचयेक हांव आसुसतालों तेच रंगमाचयेक म्हज्या नांवाचो अभिमान दिसपाक जाय. ते दिशेन हांवें पावलां मारपाक रोखडीच सुरवात केली.

ज्या भुरग्यांक नाटकाची आवड आसा आनी जांकां रामनमीच्या नाटकांनी फकत ताळयो मारच्यो पडटाल्यो तांकां घेवन हांव ल्हान ल्हान नाटकां बसयतालों. संवाद म्हजेच आसताले. हाताक मेळटा ते कपडे, साडयो, पिड्याच्यो तलवारी, डब्याचे संगीत आनी तोंडांत तयार केल्ले पार्श्वसंगीत हे घटक एकठांय करून गुळेलकाराच्या पोरसांत आमचें नाटक चलतालें, बसोवपी आमीच, प्रेक्षकूय आमीच,

ताळयोय आमच्यो आनी संवाद चुकलेल्यांक गाळीय आमच्योच.

हेरांचीं नाटकां पळोवन हांव नाटक शिकत गेलों. नाटकाची बारीकसाणीन चिकित्सा करीत गेलों. नाटकाच्यो येसायो चालू आसतना म्हजे लक्ष दिग्दर्शका कडेन चड आसतालें. तो किदें सांगता, किदें सुचयता, संवाद कशे म्हणून दाखयता ह्या गजालीं कडेन हांव चड लक्ष दितालों. चिकित्सक नदरेन मागीर नाटकाचें प्रत्यक्ष सादरीकरण पळयतालों. नाटका दिसा जर खंयच्याय कलाकारान चूक केली की म्हज्या तोंडांतल्यान न्हयकारी उतरां येतालीं. “चुकलो रे तो. अशें कर म्हण ताका सांगूकच नासलें.” कुशीक जर कोणय ताचो सोयरो वा घरचो बसलेलो आसत तर तो मागीर म्हाका रागान पळयतालो. तोवूय मागीर म्हाका खेपतालो. हांवें सगळें सोंसलें. पूण नाटकां पळोवप आनी चिकित्सक नदरेन अभ्यास करप मात चालूच दवरलें. म्हज्यांतल्या नाट्य कलाकाराक खरो वाव मेळ्ळो तो साखळे कॉलेजींत. ह्या महाविद्यालयात खूप कार्यावळी जाताल्यो. एकपात्री अभिनयाचें बक्षीस हांवें केन्नाच सोडलें ना. म्हजो इश्ट आनी आतांचो कोंकणीचो प्राध्यापक हनुमंत चोपडेकार सदांच म्हणटालो, पयलें इनाम थारलेलें आसा. हेरांनी लडाय करप ती दुस-या आनी तिस-या इनामा खतीर. मागीर तीं ल्हान ल्हान नाटकुली जावं वा मुखाभिनय सर्त. हांव पळोवप्यांक वेगळें कितें तरी दिवपाचो यत्न करतालों. प्रा. रामराव वाघ हाणी म्हज्यांतल्या नाट्य कलाकाराक बरे तरेन घडयलो. कला अकादमीचे एकांकिका सर्तीक ताणें म्हाका पयल्या वर्सा कलाकार म्हूण व्हेलो आनी दुस-या वर्सा पुराय एकांकिका सर्तीचो भार म्हजेर दिवन म्हजो आत्मविश्वास वाडयलो.

म्हज्या एकांकिका लेखनाची सुरवात हांगाच जाली पूण मजेशीर आनी योगा-योगाची. मोर्लें, सत्तरी हांगा ‘सत्तरी ग्रामीण संस्थेन’ अखील तालुका पांवड्या वयली पयली एकांकिका सर्त आयोजीत केली. आठ दिसां पयलींच हांवें कॉलेजींत तरनाट्यांची बेकारी ह्या विशयाचेर एकपात्री अभिनय सर्तींत इनाम घेतिल्लें. हांवें थारायिल्लें, होच विशय घेंवन एकांकिका बरोवप. आनी खरेंच बरोवन काडली. बोल्सांत पयशे नात. जर आनीक वांगडी घेतले तर येसाय मारपाक आनी हेर गजालींक पयशे जाय पडटले, तेन्ना थारायलें, एक नवीन प्रयोग करप आनी दोगाच कलाकारांनी विविधांगी भुमिका करपी संहिता तयार करप. पळयतां पळयतां संहिता तयार जाली. म्हजो वांगडी जयकृष्ण वेळूसकार म्हज्या वांगडा आसलो. ताका दुसरे भुमिके खातीर तयार केलो आनी मेहनत घेवन एकांकिका तयार केली.

स्वताच हांव एक लेखक आशिल्ल्यान नेपथ्य म्हाका जाय तशेंच घडयलें. फकत एक 'मायलस्टोन' हें आमचें नेपथ्य. प्रेमानंद कुंभार ह्या म्हज्या इश्टान 'काटकसरीची' आवाजा येवजण आनी उजवाडा येवजण सांबाळ्ळी. म्हज्या जिवितांतले पयलेच एकांकिकेन लेखनाचें पयलें, सादरीकरणाचें दुसरें आनी हेर इनामांय मेळयलीं. दुस-या वर्सा तेच सर्ती निमतान म्हजी दुसरी संहिता 'सॅमीसर्कल' तयार जाली. तिकाय लेखनाचें पयलें, सादरीकरणाचें दुसरें, नेपथ्याचें पयलें अशीं इनामां मेळ्ळीं. हे सर्ती उपरांत झिलू गांवकरान म्हाका म्हळे, 'आपा तुजे कडल्यान आमकां खूब अपेक्षा आसात. आनी त्याच हावेसांतल्यान हांवें आनीक दोन एकांकिका बरयल्यो. पूण त्यो माचयेर आयल्यो नात. एक लेखक म्हूण हाचें दुख्ख आसाच.

नाट्य समिक्षेच्या मळार ल्हव ल्हव हांवें बारीकसाण हातासली. नाटक बारीकसाणीन शिकलों आनी समिक्षेच्या मळार म्हजें अशें एक अस्तित्व निर्माण केलें. मदलो काळ म्हणल्यार सुमा १० वर्सां कांय वयक्तीक कारणां खातीर म्हजें लिखाण बंद उरलें. बरयिल्ल्यो एकांकीका फायलींत बंदिस्त उरल्यो. पूण जे दिसा म्हजो 'एस.एम.एस' कथासंग्रह उजवाडाक आयलो ते दिसाच हांवें वाचप्यांक सांगलें, 'हांव आतां बरयत रावतलों. वर्साक उण्यांत उणें एक तरी पुस्तक कोंकणीक दितलों. त्याच हावेसान आयज म्हजो हो एकांकिका संग्रह तयार जाला. हांवें वर्साक एक पुस्तक म्हणिल्लें, पूण तीन वर्सांनी म्हजीं चार पुस्तकां प्रकाशीत जातात ही म्हजे खातीर ख-यानीच अभिमानाची गजाल. हाचे पुराय श्रेय म्हज्या वाचप्यांच्या मोगाक आनी आशिर्वादाक वता.

दर वर्साक एक कथासंग्रह आनी एक एकांकिका संग्रह हांव कोंकणी सरस्वतीच्या पांयां कडेन ओंपपाचो यत्न करतलों. म्हाका फकत तुमचो आदार मेळचो, मोगाचो आनी मायेचो...

आपलें नाटक वा एकांकी माचयेर सादर जावची हो दर एका लेखकाचो एक हावेस आसता. पूण खूबशे लेखक ताचें नाटक वा एकांकी सादर करचे पयलीं आपली मन्यताय घेवपाची अट घालतात. हे प्रथेक हांव निखालूस सहमत ना. दर एक नाटक हें सादर जावपा खातिरूच आसता. देखून हातूतली खंयचीय एकांकिका माचयेर सादर करचे पयलीं म्हजे मान्यतायेची वाट पळोवची न्हय.

अजय ज्यो. बुवा (आप्पा बुवा)

अनुक्रम

१. डार्लींग अबोड	९
२. सॅमीसर्कल	२१
३. प्रस्नचिन्नां सासणाचीं	३७
४. ए फॉर एडम, ए फॉर एपल, ए फॉर एड्स	५७
५. राजिनामो	७०

डार्लींग अबोड

आरमांड :

रूमबॉय :

पर्पेचुआ :

निवेदक :

आई :

कॅनडी :

डार्लींग अबोड

प्रवेश पयलो

(माचयेर मद्दीं पारदर्शी काशांव. वणटीक एका खुंटयाळ्याक एक धवो शर्ट लोंबकळटा. दुसरे वटेन व्हंकलेचो लग्नांतलो गावन. काशांवांत पर्पेचुवाचें प्रेत आसा. हातांत फुलांचो तुरो घेवन आरमांड येता. ताचे फाडल्यान केक घेवन एक रुमबॉय येता. आरमांड टिप्स म्हूण ताच्या हातार शंबर रुपयांची नॉट दवरता.)

आरमांड : टेक धीस. हांगा मेरेन आयिल्ले खातीर तुका देव बरें करूं.

रूमबॉय : थॅन्क्यू सर, लग्नाच्या वाडदिसाचीं परबीं सर. (काशांवा कडेन पळयत) मॅडम, तुमकांय लग्नाच्या वाडदिसाचीं परबीं.

आरमांड : देव बरें करूं इश्टा. म्हजे कडल्यान आनी पर्पेचुवा कडल्यान लेगीत. मागीर केक खावपाक जमुया. सगल्यांक लॉबींत आपोवन घे. तो मेरेन हांव म्हज्या डार्लींगा वांगडा गजाली करतां.

रूमबॉय : sure सर, फाटल्या दोन वर्सां सावन तुमचो जल्मदीस, तुमच्या लग्नाचो वाडदीस आनी मॅडमीचो जल्मदीस आमी विसरनात. तुमचे खोशयेंत सहभागी जावपाक आमकां खूब आवडटा सर.

आरमांड : थॅन्क्यू इश्टा, चल, आयज सगल्यां खातीर बियरींची ऑर्डर दी.

रूमबॉय : थॅन्क्यू सर, येता हांव. कित्याचीय गरज पडल्यार म्हाका उलो मारात.

आरमांड : sure. (रूमबॉय वता. आरमांड केकीचो बॉक्स काशांवाच्या पांयां कडेन दवरता आनी बॉक्स उगडटां डगडटां उलोवपाक सुरवात करता.)

आरमांड : डार्लींग, हाव आर यू? कशें आसा? न्हीद लागली? न्हिदिल्ले अवस्थेंत तूं इतलें सुंदर दिसता, अशें दिसता, तुजें वेंगेंत वच्चें देहभान विसरून. पूण हो काशांव आड येता. येदोळ तो रूमबॉय वतां वतां किदें उलोवन गेलो आयकलें तुंवें? कसलीय गरज पडल्यार ताका उलो मार. खरें सांगू? तूं मुखार आसल्यार जीण पुर्णत्वाक आयिल्ले भशेन दिसता. जाय तें सगळें मेळ्ळें, आतां कित्याचोच

उणाव ना. पुराय पोंसो भरून सांडिल्ल्याचो भास जाता. तरी तो म्हाका म्हणपाक लागलो, किदें जाय काय म्हूण .... हय, म्हाका जाय. म्हज्या डियराचो सांगात. ताचो तो अमूरपिको स्पर्श, तुचीं तीं केंसांतल्यान ल्हवपीक भोंवपी बोटां... ऑफिसांतल्यान घरा परत येतकच तुज्या हातांतल्यान मेळपी तो थंडगार उदकाचो घोंट. जाय म्हाका, हें सगळें जाय.... तो रूमबॉय म्हाका हें सगळें दिवपाक शकना. तरी लेगीत ताणें म्हाका किदें जाय काय म्हूण विचारलें. सामको पिसो. (कांय खीण शांतताय. संगीत सुरू जाता.) ये बाय, ऊठ गो. केक कापुया न्हय? आयज आमच्या लग्नाचो तिसरो वाडदीस. काळ कसो गेलो कळुकूंच ना. वचपी दर खीण कसो वता हें कळच ना पूण वतना असंख्य प्रस्न दवरून वता.... डार्लींग, ऊठ तरी. हें कितें? केन्ना सावन हांव एकलोंच बडबडटां. आमच्या लग्नाचो केक कापपाक जाय, हॉटेलांतल्या सगल्या कर्मचा-यांक पार्टी दिवंक जाय. (माचयेर काळोख जाता. संगीत चालूच आसा. काशांवा कडल्यान धुंवर येता. फकत काशांवाचेर उजवाड. पर्पेचुआ हळू हळू उठून भायर येता. माचयेर हळू हळू उजवाड जाता.)

पर्पेचुआ : हाय! डियर, लग्नाच्या वाडदिसाचीं हुनहुनीत परबीं.

आरमांड : हे! तुकाय बी. पिशा कशें आसा?

पर्पेचुआ : हांव मजेन, तूं कसो आसा?

आरमांड : हांव मजेन आसां अशें म्हणचों ना. पूण सारतां जीण उगडासांचे कोठयेकुडींत.

पर्पेचुआ : उगडास! कोणाचो रे?

आरमांड : कोणाचो म्हणल्यार? तुजोच. आनी कोणाचो काडूंक शकतां?

पर्पेचुआ : तुज्या ऑफिसांत आसत त्यो चंपा, चमेली. तांचो येना तर?

आरमांड : पळय मोगा! ऑफिसांतल्यो सगळ्यो बायलो म्हज्यो बा-यो इश्टिणी. जशे इश्ट आसतात तश्यो इश्टीणींय आसूंक शकतात? खरें सांगूं? तांचे खातिरूच जिवीत कांय अंशी सुसह्य जाता. ना जल्यार बोथट जाता आशिल्लें.

पर्पेचुआ : खरें इश्टिणीच न्हय त्यो? मागीर एक सांग? म्हज्या मरणाक म्हजे कुडी कुशीक बसनासतना तुका वेगांवन कित्याक उब्यो आशिल्ल्यो

त्यो?

आरमांड : किदें हीं पिशेपणां? तुमी बायलो मेले उपरांत लेगीत संवशरुपी वस्त घालुनूच भोंवतात न्हय? (दोगांय हांसतात)

दोगांय : चल, केक कापुया न्हय?

पर्पेचुआ : वाव! वॉट अ केक! किदें मस्त आयसिंग केलां न्हय? मायकल अंकला कडल्यान स्वता बसून करून घेतला मरे? मुळांतूच तूं क्रियेटिव्ह. एक काम कर, एक केकशॉप घाल. बरे तरेन सजय आनी भायर बोर्ड लाय. 'लियो केक पॅलेस'...लियो... लियो... राजा, कसो आसा रे म्हजो लियो? दुडूदुडू धांवत आसतलो न्हय? रडटा रे अदीं मदीं? ना, रडचो ना म्हजो बाळ. णव म्हयनें पोटांत आशिल्लो तो म्हज्या. ताची दर हालचाल म्हाका समजिकायेची दिसताली. ना तो तुका सतावचो. दांत आयले रे ताका? कोणा सारको दिसता? सांग न्हय म्हाका. ताच्यो बाळलिला सांग न्हय. ताका मातृसूख दिवपाक शकलें ना रे. दूद दिलें ते लेगीत एकदांच. कुशींत न्हिदला म्हज्या पूण तो लेगीत एकूच रात. राजा सांग न्हय लियोच्यो गजाली. रंगय ताचें चित्र म्हज्या दोळ्यां सामकार. लियोची शपथ. रडचें ना हांव. प्लीज सांग न्हय.

आरमांड : पिशा, सगळें सांगतां. पयली केक तरी कापुया. आयज आमच्या लग्नाचो वाडदीस विसरलें?

पर्पेचुआ : कशें विसरन? आयज मास्टर ऑफ सॅरिमनीचो मान तुजो.

आरमांड : (मायक हातांत घेतिल्ल्याचो अभिनय करीत) लॅडीज एण्ड जण्टलमॅन, वार्म वॅलकम टू यू फोर दी वण्डरफूल इवनींग. आरमांड आनी पर्पेचुआ हांच्या लग्नाचो वाडदीस. आमकां तो दबाज्यान मनोवपाचो आसा. तेन्ना मजा करताना अनमनूं नाकात. पोटभर खावंक विसरूं नाकात. सो लॅडीज एण्ड जण्टलमॅन, कावण्ट डावन ईज स्टाटेर्ड. फोर... थ्री... टू... वन... एण्ड हियर वी गो. (संगीत सुरू जाता. दोगांय केक कापतात. एकामेकाक भरयतात. एकामेकाक परबीं भेटयतात. ल्हव ल्हव अंधूक उजवाडान एकेक करून पांच स जोडपीं नाच करपाक येतात. आरमांड आनी पर्पेचुआ लेगीत नाच करतात. नाच चालू आसतानाच एक दादलो पर्पेचुआक आपले

बराबर नाच करपाची विनंती करता आनी आरमांड एके बायले वांगडा नाच करता. नाच चालू आसतनाच पर्पेचुवा नकळटनाच काशांवांत वचून न्हिदता. संगिताच्या तालार एकेक जोडपें नाच करीत करीत भायर वता. पर्पेचुआ वांगडा नाच करपी दादलो आरमांडा कडेन येवन आपले इश्टणीक आपले कडेन आफयता. तीं दोगांय नाच करीर करीत भायर सरतात. आरमांड एकलोच उरता. काशांवा कडेन पळयत मोनो उबो आसा. आतां फकत काशांवाचेर उजवाड. त्याच उजवाडाचो एक झोत आरमांडाच्या चे-याचेर आनी एक झोत धव्या शर्टाचेर. शर्टा मदल्यान निवेदन सुरू जाता.)

निवेदक : हय, हय, हांवूंच उलयतां. हांव आरमांडाच्या लग्नांतलो शर्ट. ताचे आवडीचो. पर्पेचुआन बरीं धा दुकानां भोंवून म्हाका वेंचिल्लो. हांव ह्या दोगांच्याय जिविताचो गवाय. दोगांय मदलो दर खीण हांवें अळंगपणान झेल्ला. तांच्या सूखदुख्खाची एकमुळी गवाय. पर्पेचुआचें प्रेत जेन्ना हांगा हाडिल्लें तेन्ना आरमांडाच्या आंगार हांवूंच आशिल्लों. ताच्या दोळ्यांतल्यान अळंग पडपी दुकां हांवें पेल्ल्यांत. हरशीं दुकां खारट आसतात. पूण त्या दिसा म्हज्या आंगार पडपी दुकां बेचव आशिल्लीं. कारंण आरमांडा भशेनूच दुकांनी लेगीत अजून मेरेन पर्पेचुआचें मरण स्विकारूंक ना. ताच्या संपर्कांत आयिल्ल्या कोणाकूच ताचें मरण मान्य ना. आशिल्लेंच म्होंवाळ तें. खेळकर, हांसत्या मुखाचें आनी दुस-यांकूय हांसोवपी. आज तें ना. पूण ताचें अस्तित्व आसा. पळयात, कशें सुस्त न्हिदलां तें. दिसता, आतां उठ्ठलें आनी आरमांडाक वेंग मारतलें आनी म्हणटलें, कितलो कळाव केलो रे आज येवपाक? ख-यांनीच, कॅनडी अंकल यू आर ग्रेट. (निवेदन सोंपता आसतनाच ल्हव ल्हव माचयेर उजवाड पसरता. उजवाड आरमांड आनी पर्पेचुआचेर.)

आरमांड : खरेंच, कॅनडी अंकल यू आर ग्रेट. कितली सुंदर कल्पना, 'डार्लींग अबोड' कितली विलक्षण संकल्पना. करतात न्हय तुमी मोग तुमच्या मनशांचेर? मागीर दवरात तांकां हांगा तांच्या मरणा उपरामत लेगीत... 'कॉर्प्स हॉटेल'. थोडे लोक पयशे कमायतात आनी थ्री स्टार फाय स्टार हॉटेलां बांदातात, लोक येतात, रावतात रिशॅपनिश्टेचो अडेचो हांसो झेलयत. मजा करतात आनी दोन तीन दीस रावून

नाच जातात. पूण कॅनडी अंकलान पुंजायिल्लो सगळो पयसो ओंतून किदें बांदलें तर.. 'डार्लींग अबोड'

पर्पेचुआ : (काशांवांतल्यान आवाज काडटा.) राजा, उलोवपाक खूब सोंपें आसा तें. पूण आमची किदें अवस्था जाता खबर आसा तुका. आमचें शरीर हांगा झेलाचो गुळो जावन पडलां. आंगार कांटे फुलतात. लायट गेली काय जनरेटर सुरू, पूण आमचें चिलींग मात सोंपून सोंपना.

आरमांड : पिशा, तेच खातीर तुमी हांगा सुरक्षीत आसात. मातशें स्वताक पळय. आसा तशेंच आसा. हायटॅक फ्रिजींग सिस्टम म्हणटात हाका. तुमची कूड आनी आमचीं मनां टवटवीत दवरपा खातीर हीच सुवात योग्य. आनी हाका लगुनूच आमी पयशे मोडटात.

पर्पेचुआ : पूण ते खातीर कितलो खर्च करचो पडटा तुका. पयलीं आमचो दोगांचोय पगार आसतालो. आतां सगलो खर्च तुजो एकल्याचोच. तुजी धानाधिस्पट जाता आसतली न्हय? पयशां ख़ातीर तारे वयली कसरत करतना म्हज्या लियोक कसलोच उणाव जावंक दिवं नाका. गुटगुटीत दवर म्हज्या बाळकाक. ताचें अस्तित्व आमच्या दोंगां खातिरूय म्हत्वाचें आसा. ए! सांग न्हय. कोणा सारको दिसता? तुजे भशेन काय म्हजे भशेन?

आरमांड : हेंच तुजें पिशें म्हाका आवडटा. लियो कोणा भशेन दिसता हें विचारपाचें. तुजे भशेन म्हणटकच एकदम हांसप आनी मागीर भांगराळीं पांखां लावन सपनांच्या गांवांत वचप. म्हाकाय सांग न्हय तुमच्या जगा बद्दल. हांगा ह्या हॉटेलांत उण्यांत उणे दोनशे लोक तरी आसात तुमी. सगलीं न्हिदतकच तुमी उलयतात आसतलीं न्हय?

पर्पेचुआ : आमचो संवसार वेगळो आसता राजा, जशीं आमी जितीं आसतना आपल्यांची वाट पळयत बसतालीं तशींच आमी आतांय पळयतांत, दिसता कोण तरी येवचो, हाडचीं गुलाबाचीं फुलां. उलोवचें ताणीं आमचे कडेन कांय खीण.

आरमांड : लियो लेगीत सांज जातकच म्हजी वाट पळयत बसता. म्हजो आवाज आयकले बराबर आईचे कुशींतल्यान धांवत येवन म्हाका

वेंग मारता. चोंच-या आवाजान सदांच्योच काणयो सांगत बसता. ताका पळयतकच सगळो शीण गळून पडटा. रातीं न्हिदतना लेगीत म्हाका घट्ट वेंग मारून न्हिदता. तुजें बाळक खुबूच गोंडस आसा.

पर्पेचुआ : खरेंच? देवाक सांगपी हांव. म्हजें बाळक... म्हजो लियो फुडल्या जल्मांत लेगीत म्हजेच होंटयेंत घाल. दोनूय जल्मांचें रीण फारीक करतलें हांव. ताका सगळें किदें दितलें. (इतल्यान रूमबॉय येता.)

रूमबॉय : सर, व्हिजिटींग वेळ सोंपलो. काशांवाच्या मॅण्टनन्साचो वेळ जालो. अर्दें वर जालें. तुमचो वेळ सोंपलो. आयज मुद्दामूच तुमकां चड वेळ दिल्लो. देखरेख करपी तांत्रीक कामगार भायर तिश्ठतात. (रूमबॉयचें उलोवप चालू आसतनाच पर्पेचुआ ल्हवूच काशांवांत वचून न्हिदता. आरमांडाक हात दाखयत.)

आरमांड : बाय डियर! (रूमबॉयक) हो केक घे आनी सगळ्या कर्मचा-यांक वांट.

रूमबॉय : यस सर, बाय सर. (पर्पेचुआक फ्लायींग कीस दीत आरमांड भायर सरता आनी केक घेवन रूमबॉय लेगीत ताचे फाटोफाट वता.)

प्रवेश दुसरो

(माचयेर ल्हव ल्हव उजवाड जावपाक लागता. कोनशाक सिंबोलीक दिवाणखानो. आरमांडाची आवय लॅपटोपाचेर काम करीत बसल्या. भायल्यान आरमांड येता.)

आरमांड : आई, हो केक घे.

आई : कसलो केक?

आरमांड : कमॉन आई, अशी कशी विसरता तूं. आयज म्हज्या लग्नाचो वाडदीस.

आई : लग्नाचो वाडदीस मनोवपाक वांगडा दुसरो जोडिदार लागता. तू विधूर आसा खबर आसा न्हय? (कांय वेळ शांतताय.) आय एम सॉरी!

आरमांड : इट्स ओके आई. तूं म्हणटा तें बरोबर. लागता दुसरो जोडिदार आनी तो म्हजे कडेन आसा. आयचो दीस हांवें किदें एकल्यानूच

मनोवंक ना. वांगडा पर्पेचुआ आशिल्लें. आमी दोगांनीय मेळून केक कापला. तुका खबर आसा? आयज आमी डान्स लेगीत केलो. खूप जोडपीं आयिल्लीं, मस्त मजा केली. आई, केक खायना? पर्पेचुआक खूब आवडलो आयचो केक.

आई : वस्तूस्थिती समजून घे पुता. पर्पेचुआ आतां ह्या संवसारांत ना. पयल्याच बाळंटेराक सोडून गेलां आमकां तें. तें परत येवंक शकना. म्हाका सगळें खबर आसा. हांवूंय अदीं मदीं वतां त्या होटॅलांत. पर्पेचुआच्या काशांवा कडेन पळोवन तूं एकलोच बडबडत आसता. हांसता, ताळयो मारता. अशें करूं नाका. तुका पिशें लागत. सत्य समजून घे पुता. तुका जगपाचें आसा लियो खातीर. लियोक तुका वाडोवपाचो आसा. पर्पेचुआचीं सगळीं सपनां पुराय करपाचीं आसात.

आरमांड : सपनां पुराय करतलों हांव, ताचीं सगळीं सपनां पुराय करतलों तिच्या दोळ्यांतले भाव वाचून. दोळे उकते करून उलयता तें म्हजे बराबर. सोयरीक करूंक गेल्लीं तेन्ना तूं म्हणटाली न्हय, पर्पेचुआचे दोळे बोलके आसात म्हूण.

आई : तूं सत्य स्विकारपाक तयार ना पुता. हांव आतां म्हातारें जायत चल्लां. फाल्यां जर म्हजें किदें बरें वायट जायत जाल्यार लियोक कोण सांबाळटलो? अजून खूब ल्हान आसा रे तो. म्हजें आयक, तुवें अजून तिशी हुपूंक ना. लग्न कर. तुजी बायल आयली काय हांव ख-यांनीच मेकळें जातलें. खंयचेच आवयक आपल्या पुताचे हाल पळोवपाक जायनात. समजून घे म्हाका. दुसरें लग्न कर.

आरमांड : ना आई! तें शक्य ना. म्हजें पर्पेचुआ आसा थंय. तें सुस्त न्हिदलां. न्हिदुदी ताका अशेंच निवांत. ताचें अस्तित्व पुसप शक्य ना.

आई : तुजी मर्जी. पूण म्हजें एक काम करशीत? म्हाका मरे पयशे जाय. एक चेक मेळत?

आरमांड : हें किदें आई? म्हजो पयसो हो तुजोच न्हय? सांग कितले जाय तुका?

आई : कोरो चेक दिशीत? म्हाका नक्की कितल्यांची गरज आसा तें फाल्यां कळटलें. आतां सांगूंक जावचें ना. दिता न्हय?

आरमांड : हय. (भितर वचून चेकबूक घेवन येता. एक चेक काडून आईक

दिता.) आई, म्हजी एक विनवणी आसा. म्हज्या खात्यांत कितले पयशे आसात ते मात म्हाका खबर ना. फकत पंचवीस हजार बॅलन्स दवर आनी उरिल्ले तुका जाय तितले काड तूं. ह्या दिसांनी पर्पेचुआच्या हॉटेलाचो चेक येवपाचो आसा. तो बावन्स जावप समा न्हय.

आई : बरें, लक्षांत दवरतां हांव. चल फ्रॅश जा. जेवपाक वाडटां. (माचयेर काळोख. संगीत सुरू. प्रकाशाचो झोत शर्टाचेर.)

निवेदक : ते आवयची तळमळ आरमांडाक कळनाशिल्ली. तिका दिसतालें. पुतान लग्न जावन नवीन संवसार थाटचो. एक नवें जग उबें करचें. पूण पर्पेचूआ ह्या संवसारांत सजीव रुपान ना हें तो मान्य करपाकूच तयार ना. खरें म्हणल्यार आरमांडाच्या ह्या मोगाक किदें नांव दिवचें? उपाट मोग? एक व्रत?...एक तपश्चर्या? काय आनीक कितें? पूण ताचे आईन हे फावट मात आरपारचें झूज लढपाचें थारायलां. आरमांडाचो स्वभाव तिका खबर आसा. कितेंय जावं तो आड्डूचो ना. आपले आवयचेर जाल्यार केन्नाच ना. आनी देखुनूच ती एक तिरपी चाल चल्ल्या. हें पावल उखलतना भितरले भितर ती लेगीत खूब रडली. गॉड फॉरगीव मी अशें उण्यांत उणेंच धा फावटी तरी चेक बरयतना तिणें म्हणलें. पूण निमणें तिणें जें किदें केलें तें सगल्यांच्याच ब-याक. आरमांड, स्वता ती, लियो आनी हय, पर्पेचुआ खातीर लेगीत. पूण आतां खरी घालमेल सुरू जाल्ली आसा. खरें नाट्य आतां घडपाचें आसा. (उजवाड आईच्या दिवाणखान्याचेर. आरमांड धांवत येता.)

आरमांड : why, mummy why...? आई अशें कित्याक केलें तुवें?

आई : किदें केलें हांवें, तूं इतलो रडकुळेक कित्याक पावला?

आरमांड : आई, तुवें चेकाचेर कितलो आंकडो घातिल्लो?

आई : फूल बॅलन्स.... म्हजी गरज मोटी आशिल्ली. आनी तुवेंच म्हणिल्लें न्हय, तुजो सगलो पयसो म्हजोच. काडले हांवें.

आरमांड : पूण आई, तुका हांवें सांगिल्लें न्हय पंचवीस हजार दवर म्हूण. नाजाल्यार म्हाका सांगपाचें तरी आसलें, तुजी गरज मोटी आसा म्हूण. हांव खंयच्यानूय तजवीज करून दितलों आशिल्लों. हॉटेलाचो

चेक बावन्स जालो आई. तुजे चुकी खातीर पर्पेचुआ म्हाका सासणाचें सोडून वतलें. हॉटेलाच्या करारा प्रमाणें म्हजो चेक बावन्स जावंक जायना. ही पळय तांणी म्हाका नोटीस धाडल्या. बॉडी घेवन चल म्हूण.

आई : हांवें हें जाणा जावनूच केलां आनी ताचे खातीर देवा कडेन हांवें माफी लेगीत मागिल्ली आसा.

आरमांड : पूण कित्याक?

आई : कारण एकूच. जो मेरेन पर्पेचुआची कूड त्या हॉटेलांत आसा तो मेरेन तूं ताका विसरूंक पावचो ना. तूं पुराय तरेन ताचे भितर गुंथून उरला. ताचेर निमणे संस्कार जाले की तूं आपसूक ताका विसरतलो. आनी नवो संवसार सुरू करतलो. म्हजो हेतू शुद्ध आसा पुता. तुज्या ब-या खातीर आनी लियोच्या फुडारा खातीर सगलें केलां हांवें.

आरमांड : ताचे खेरीज हांव जगूंक शकना. आसुंदी ताका न्हिदिल्ले अवस्थेंत. पूण ताचें अस्तित्व जगपा खातीर म्हाका उर्बा दिता. आनी पर्पेचुआ लेगीत म्हजो उपाट मोग करता. ताचो आत्मो रडटा आसतलो.

आई : हांवें ख-यांनीच चूक केल्या अशें तुका दिसता आसत जाल्यार म्हाका माफ कर. चड वेळ घालोव नाका सोय-या धाय-यांक निमण्या संस्कारांची खबर कळय. परत एक फावट म्हणटां, म्हाका माफ कर. (ल्हव ल्हव काळोख. परत उजवाडाचो झोत शर्टाचेर)

निवेदक : आरमांडाच्या अंतस्करणाची तळमळ फकत आनी फकत हांवूंच समजून घेवंक शकतां. दोन वर्सां ताणें पर्पेचुआक सांबाळून दवरलें. आनी आयज ताका सासणचो निरोप दिवपाचो वेळ लागीं पावला. जे कुडीचेर ताणें मना पसून मोग केलो तीच कूड आतां कांय वरां उपरांत अनंतांत विलीन जावपाची आसा आनी मागीर ल्हव ल्हव ताचे उगडास लेगीत अनंतांत विरून वतले. उरतले फकत भास आनी आभास. उगडासांच्या हिंदोळ्यांचेर धोलत रावतले ते सहवासाचे खीण. आयज आरमांड जितलो शोकमग्न आसा तितलोंच हांव लेगीत आसां. आयज हांव लेगीत हड्डें फुगून रडटां. आयज म्हजोय तसो शोक करपाचोच दीस कारण आयज अरमांडा वांगडा म्हजोय मोग काळाच्या पड्ड्या आड वतलो. सामको पयस वतलो.

केन्नाच हाताक लागचो ना इतलो. तुमी म्हणटले, हांव आनी कोणाच्या मोगांत पडलां काय? खरें सांगू? पर्पेचुआच्या आगांत जो वॅडींग गावन आसा न्हय ताच्याच मोगांत पडलां हांव. तो धवोफुल्लो नक्षीदार गावन म्हजो खरो मोग जावन आसा. आरमांड जेन्ना जल्मदीस, लग्नाचो वाडदीस पर्पेचुआ बराबर मनयतालो तेन्ना तांचे बराबर फकत हांवूच आसतालों. आनी तेन्नाच हांव म्हजे मोगिके कडेन मोगाच्यो गजाली करतालों. आतां सगळें किदें सोंपपाचें आसा. प्रथे प्रमाणें पर्पेचुआचे कुडी वांगडाच म्हज्या गावनाचे लेगीत निमणे संस्कार जावपाचे आसात. धरतरेचे कुशींत विलीन जातलीं तीं दोगांय आतां....सासणा खातीर. चल वतां हांव आरमांडा वांगडा बॉडी हाडपाक.

(काळोख. माची उजळटा तेन्ना काशांवा कडेन आरमांड बशिल्लो आसता.)

आरमांड : I am sorry dear. आयज तुका हांव पयसावतलों. सासणाचों. सांजेचे तुजेर निमणे संस्कार. मागीर तूं लांबदीक प्रवासार. परत केन्नाच न येवपा खातीर. अशें दिसता, येवचें देवान आनी ओंतचे प्राण तुजे कुडींत. आनी येवचें तुं म्हजे वेंगेंत. पूण आतां हीं सगळीं सपनां सपनांच उरपाचीं आसात. आई म्हणटा, हांवें दुसरें लग्न जावचें. पूण तुजो सोपूत पर्पेचुआ, जावंचों ना हांव दुसरें लग्न.

पर्पेचूआ : ना राजा, तुका लग्न जावचेंच पडटलें. आमच्या लियो खातीर. आयज तुजे पसून पयसावतना म्हाका वायट दिसताच पूण कांय गजाली आमच्या हातांत नासतात शाण्या. हांव आसतलेंच तुमचे भोंवतणी सावळे भशेन तुमची काळजी घेवपा खातीर... अदृश्य रुपान. जाली तयारी म्हज्या निमण्या प्रवासाची? (तितल्यान मिस्टर कॅनडी भितर सरता.)

कॅनडी : आरमांड, माय बॉय. तुजे खातीर खोशयेची गजाल. तूं बॉडी परत व्हरपाची कायच गरज ना. हांवें फाटल्या दोन वर्सांच्यो व्हिजीटर्स एण्ट्री पळयल्यो. हेर बॉडींचीं मनशां थरावीक वेळारूच हांगा येवन गेल्यांत. केन्ना वाडदिसाक, जाल्यार केन्ना आनी कसल्या सुवाळ्याक. पूण तूं मात हांगा न चुकतां येता. म्हज्या हॉटेलाची संकल्पनाच मुळांत तुजे सारक्या लोकां खातीर आसा. जे मरण स्विकारपाक

तयार नात तांचे खातीर. दवर तूं बॉडी. बावन्स जाल्लो चेक माफ तुका. पयशे मागीर भर. हांव येतां. You carry on with your romance (तो वता.)

आरमांड : डिअर, पळयलें? कॅनडी म्हाका किदें सांगून गेलो तो. तूं रावपाक शकता. Oh God what a day. म्हजे जिणेंतलो सगल्यांत सुखाचो आनी आनंदाचो खीण.

पर्पेचुआ : पूण म्हज्या जिवितांतलो अपेक्षाभंगाचो दीस हो. I am not happy.

आरमांड : why? पूण तूं आतां सासणाचें म्हजे वांगडा आसतलें. हांव सद्दां येवन तुजे बराबर असोच उलयत बसतलों. आनी येदोळ तुवें म्हणिल्लें न्हय? तुका लेगीत वायट दिसता म्हूण. तूं लेगीत निर्शेला म्हूण.

पर्पेचुआ : तें हांवें म्हणिल्लें तुका वायट दिसचें न्हय म्हूण. राजा, म्हाका समजून घे. फाटलीं दोन वर्सां म्हजो आत्मो घुटमळटा. म्हज्या आत्म्याक मुक्ती जाय. आनी जो मेरेन म्हजी ही निर्जीव कूड आसतली तो मेरेन म्हाका मुक्ती मेळची ना. जल्ममरणाच्या पासांतल्यान म्हाका मुक्त जावपाचें आसा. सैमचक्राक समजून घे. दी मुक्ती आमकां. म्हाका आनी म्हज्या आत्म्याक.

आरमांड : are you sure? खरेंच वचपाचें आसा तुका? चल, हांव आडोवचों ना. आनी एकतर्फी मोग करून कायच फायदो नासता. हांव तुका जिवापाड जपतां आनी तुका ते बंदिस्त दिसता आसतलें न्हय? मोगा, जा अनंतांत विलीन. (फोन काडटा) आई, एका वरान पावतात आमी. आनी Funeral time is three O'clock not five O'clock.

(भायर निमण्या संस्काराचें संगीत वाजता. पर्पेचुआ उठ्ठा. वॅडींग गावनांतली एक बायल येवन ताका हात दिता आनी दोगांय ऊंचवट्याचेर वचून उबीं रावतात. ऊंचवट्या फाटल्यान मळबाचो आभास. पर्पेचुआ आरमांडाक बाय करता. आरमांडाचो हात ल्हव ल्हव वयर सरता आनी ल्हव ल्हव निमणो पड्डो पडटा.)

—सोंपता—

सॅमीसर्कल

साक्षीदार :
सुजीत :
बॉस :
वर्षा :

सॅमीसर्कल

(पड्डो धांपिल्लो आसा. साक्षीदार हातान हार घेवन येता. पड्ड्याच्या एका पोंताक बांदता. दुसरी आंटी हातान घेता आनी प्रेक्षकांक नमन करता.)

साक्षीदारः माय बाप प्रेक्षकांनो, तुमकां नमन. तुमकां म्हजें साश्टांग दंडवत. खुबूच काळ जालो न्हय. हांगा धांवं, थंय धांवं. फेसबुकार बस, गुगलाचेर सर्च कर, हाका मेल धाड, ताका फोरवर्ड कर, अशें करतां करतां वेळ कसो पासार जाता कायच कळना. कुल्याक जळारी चाबपाक लागल्यो की तिनसांज जाली म्हूण कळटा. आयज हांवें चड आळस करूंक ना. दनपारची न्हीद तर काडलीच ना. आयज म्हजी कार्यावळ. हांव हेच एकांकिकेंत पार्ट करपाचों आसां. घरांतल्यान बेगीन भायर सरलों. पूण सदांच्याच ट्राफिकांत घुसपलों. म्हाका माफ करात, हांवें तुमकां तिश्टत दवरले. तुमी म्हाका मनांतल्या मनांत खूब खेपतात आसतले, गाळी घालतात आसतले न्हय? खरें न्हय? मागीर आतां पिकासांव करून घेवं नाकात. फुकट गेल्यो नात त्यो. पांच वर्सां जाका गाळी घालतात ताकाच दिल्लीं मतां जशीं फुकट वचनात तश्यो म्हाका दिल्ल्यो गाळीय फुकट वच्च्यो नात. लागल्यो त्यो सत्कर्माक. लोकांनी पोटभर गाळी सवंच्यो तशेंच तर काम केलां हांवें. तुमचो चड वेळ घेना हांव. नाटकाक सुरवात करतां. नाटकाचें नांव आयकून तुमी खूब अपेक्षा घेवन आयल्यात आसतले. तुमच्या अपेक्षांक जागप हें कलाकार ह्या नात्यान आमचें कर्तव्य आसा. तें आमी कशे विसरतले? पूण तुमचो अपेक्षाभंग जालो जाल्यार मात परत एक फावट गाळी घालपाक विसरूं नाकात. हे फावट ब-या कास्ताच्यो दिल्यो तरी चलतात. तुमचो हक्कच तो. आयच्या आमच्या नाटकाक तुमी नाटक म्हणूंक शकनात. तें एक चक्र. तुमचे भाशेन सर्कल. चक्र म्हणटकच घुंवप आयलेंच. चक्र घुंवतलेंच. तें मदीं थारतलें...? हें हांव सांगपाक शकना. कित्याक तर काळ म्हज्या हातांत ना. वेळ काळ घुंवडायतलो तशीं पात्रां घुंवतलीं. घडये तेन्ना हांव एकटों पडत. पूण हांव हार मानपी न्हय. हांव यत्न करतलों. पात्रांक म्हज्या इशा-याचेर नाचोवपा

खातीर.

ह्या सैमचक्रांत आमी सगळे घुंवत आसात. तुमीच पळयात. तुमी जल्माक येतना तुमच्या चक्राक घुंवडावपाक सुरवात केली. स्वताच्या हातांनी. भांगरा महोत्सवी वाडदीस मनयतात. अर्दें सर्कल पुराय जाता. पुराय जाणटे जाता म्हणसर ३६० अंशांचो कोन गाठचो पडटा कांय जाण पुराय सर्कल करतात, कांय सॅमीसर्कल तर कांयजाण फूल सर्कल. पूण ह्या सगळ्या गजालींक कारण आसता तो काळ.

देवा म्हज्या! येदोळच्यान हांव बडबडटां. पूण हांवें म्हजें नांव तुमकां सांगलेंच ना. सॉरी हां! हांव...(नांव याद करता) याद जायना, पूण एक सांगतां, हांव साक्ष दिवपी म्हणल्यार हांव साक्षीदार. म्हाका सगळेच वळखतात. गवाय दिवपी म्हण. चराचरांतल्या जण एकल्याचें म्हजे कडेन काम आसता. बारीक मोटें केदेंय आसूं. परत एक फावट जीब सुटली म्हजी. आतां नाटक सुरू करुया. खंय गेले रे सगळे. लायट, म्युझीक ऑन करात. घे रे, तो पड्डो वयर घे. हांव रावतां हांगा प्रोम्टींग करपाक. (पड्डो वयर वता. साक्षीदार एका कोनशाक. फाटल्यान दुसरो देखावो. साक्षीदार लागींच उबो आशिल्ल्या कारणान तो गार्डनांत आसा असो भास जावपाक जाय. थंय एक तरनाटो धांवत येता.)

सुजीत : अय! शूक! शूक! हय, तुकाच उलो मारला. मात्सो हांगा येता? म्हजें एक बारीकशें काम आसा तुजे कडेन. मात्सो बेगीन यो. हांवूंच थंय येता आसलों. पूण थंय लोक आसात. प्लीज, मात्सो यो न्हय.

साक्षीदारः (ताचे कडेन लागीं वचत.) किदें म्हणटा मनीसजात. किद्याक आफयलो म्हाका? वळख ना पाळख. सोयरो ना धायरो. तुजी वळख?

सुजीत : हांव सुजीत.

साक्षीदारः नांवाक आदार दिवपाक फाटले फुडले वटेन कोण ना दिसता. तूं जल्माक येवचे पयलींच पितर सर्गार बी गेलोना मूं?

सुजीत : हांव सुजीत लवंदे. सुजीत रामचंद्र लवंदे.

साक्षीदारः बेवारशी?

सुजीत : शी! शी! बारीक काय जायना आसा म्हजें घर. स्वताचें. बेवारशी कसो तर. शांतीनगरांत आसा.

साक्षीदारः शांतीनगर खंयच्या रस्त्याक?

सुजीत : आनी खंय? एसजी रोड.

साक्षीदारः पीन कोड?

सुजीत : चार शुन्य तीन असो किदें तरी आसा.

साक्षीदारः होच प्रोब्लेम तुमचो. हजार चलयांचे हजार फोन नंबर तुमकां याद उरतात पूण गांवचो पीनकोड खबर नासता. लक्षांत दवर, मोबायल नंबर बदलत आसतात पूण पीनकोड बदलनात.

सुजीत : तुमी मात बरेच चवकस हां! पूण इन्ट्रस्टींग.

साक्षीदारः सैमाची देणगी ती. दुसरें कायच न्हय. पूण तूं लेगीत खूब शॉर्टकट हां! तें सोड, म्हाका किद्याक आफयलो?

सुजीत : एक काम आसा तुमचे कडेन. (लजता)

साक्षीदारः लजता व्हय? मागीर पयलीं पोटभर लजून घे. म्हजे मुखार लजप ना. हांव कोण खबर आसा न्हय?

सुजीत : तरीय मात्शी लज दिसता.

साक्षीदारः तूं पोट्भर लजून घे. हांव चल्लों. तुज्या नादाक लागल्यार पेजेक म्हारग जातलों. (वचपाक लागता)

सुजीत : वचू नाका. राव सांगतां.

साक्षीदारः म्हजी फी खबर आसा? एक गजाल लक्षांत दरव. तुजें काम सोंपसर तुंवें म्हाका पोसपाक जाय. म्हाका गुलाम म्हण काम करपाक आवडटा. नोकर म्हण न्हय. तूं किदेंय सांग हांव तें करपी. नितीक जावं वा अनितीक. ताचो विचार हांव करचों ना. तो विचार तुंवें करप. तुजें काम सोंपलें की म्हाका मुक्त करप.

सुजीत : तूं सांगता ती फी दिवपाक हांव तयार आसां. पूण म्हजें हें नाजूकशें काम मातशें करच तूं. म्हज्या काळजांत सगळ्यांत उंचेली सुवात दितां हांव तुका.

साक्षीदारः चल, हे घटकेच्यान आमचो करार सुरू. काम सांग. (तो मात्सो लजता) आतां लजप ना. तूं कारण नासतना वेळ पिड्डयार करता. हांव करार मोडूंक लेगीत शकतां. बेकार रावप म्हाका आवडना.

सुजीत : कशें सांगूं?

साक्षीदारः देवान तोंड दिवंक ना? तातूंत जीब, दांत, ओंठ आसात काय ना. त्या सगळ्या अवयवांचो वापर कर आनी उलय मरे बेधडक.

सुजीत : हांव म...रे... ता.... चे.... चे...

साक्षीदारः आरे बाराखडी शिकपाचो हो वेळ? केजीचो पोर्शन पीजीक कित्याक?

सुजीत : एक मिणीट. बस असो. हांव तुका सगळें समजायतां. म्हणजे तुका सगळें समजतलें, होलमतलें आनी बेसबरें कळटलें. मागीर आपसुकूच तुजें काम तुका कळटलें. (दोगूय बसतात. कुरवांनी उलयतात. कांय वेळ शांतताय.)

साक्षीदारः आरे देवा म्हज्या! हें काम? सादें मरें. तें तुजे कॉलेजींत आसा? नांव किदें म्हणलें ताचें? आतां आनी लजू नाका. बेगीन सांग.

सुजीत : वर्षा.

साक्षीदारः हां! तर हें वर्षा तुज्या वर्गांत आसा. तुका तें आवडलां. पूण तूं ताका आवडला काय ना हें तुका जाणून घेवपाचें आसा. ताच्या मनांतलें गुपीत काडपाचें आनी ताचो कसाय तुज्या कानांत ओंतपाचो.

सुजीत : तूं म्हणून सोलीड हां, बरोच हुसार. तूं म्हजें काम करतलो हातूंत मात्तूय दुबाव ना.

साक्षीदारः ये मजनू, म्हज्या सोदा उपरांत तें तुजेर मरना हें कळून आयलें जाल्यार?

सुजीत : किदेंय उलोवं नाका. आमच्या घरांत हार्टाचें दुयेंस सगळ्यांक आसा. म्हाका हार्ट अ‍ॅटॅक येवपा सारकें उलयता तूं. ह्या वगतार शूभ शूभ उलोवचें.

साक्षीदारः पूण हांव म्हणटां, न्ही, न्ही. जाणटे म्हणटाले वायट खंय पयलीं चिंतचें. मनाची तयारी जाता मागीर. रिझल्ट नॅगेटिव्ह आयलो तर?

सुजीत : तर हांव ताच्या हॉस्टेला सामकार, ताच्या दोळ्या सामकार त्या आंब्याच्या झाडाक गोळ घेतलों. आनी फडफडटना मोट्यान आड्डतलों. वर्षा......

साक्षीदारः बोब मारूं नाका. पूण म्हाक एक सांग, अशें आसा तरी किदें ते चलयेंत?

सुजीत : किदें आसा? किदें ना तें विचार. गोरें गोरें पान, फुला सारकें छान,

आनी खूब किदें. एक फावट पळोवन घे. दोळ्यांचेर विश्वाच बसचो ना. ताका पयले फावट पळयतना बोल्सांत कांदो दवरचो पडटा. ताचे रूप पळोवन बेशुद्ध पडल्यार नाकाक लावपा खातीर.

साक्षीदारः आयज रूप नगण्य जालां. आयचे तरणाटे सुवार्थी जाल्यात. रूप सामान्य आसल्यार चलता पूण चलयेचो बापूय गर्भगिरेस्त आसपाक जाय. तूं तर म्हणटा तें हॉस्टेलांत रावता. म्हणजे सामान्य घरांतलें आसतलें. गिरेस्ताचीं भुरगीं अपार्टमॅण्ट घेवन रावतात. बरोबर न्हय?

सुजीत : चुकता तुजें. वर्षा तशें गरीब वा मध्यमवर्गी न्हय. तसो हांव एके वटेन सभागों लेगीत आसा. पूण ते घडणुकेक अजून मातसो कळाव आसा. ती एक लॉटरीच म्हणल्यार जाता.

साक्षीदारः म्हाका समजलें ना.

सुजीत : आरे! वर्षा मरे मोट्या उद्देगपतीचें चली. मुंबयच्या कार अपघातांत ताच्या आवय बापायक मरण आयले उपरांत ताच्या एका संचालकान बोगस पावर ऑफ एटर्नीचेर ताचो उद्देक आपूण बळकायलो. आतां कोर्टान केस चालू आसा. जर कोर्टाचो निकाल वर्षा वटेन लागलो जाल्यार हांव एकाच खिणांत उद्देगपती आनी वर्षाचोय पती. आतां चड वेळ वगडावं नाका. निकाल लागचे पयलीं आमचें मातशें जाग्यार घाल. आमचें जमचे पयलींच जर कोर्टाचो निकाल आयलो तर तें जातलें मोटें मनीस आनी हांव सादों गरीब. मागीर तें वतलें कोण्या गिरेस्ताच्या घरांत. आतां म्हजे लॉटरीचो नंबर काडपाचें काम तुजें.

साक्षीदारः म्हणटकच तुजो दोळो वर्षाचे इश्टटीचेर आसा तर? पूण म्हाका कांयच देणें घेणें ना हां.

सुजीत : सारकें उलयलो. म्हाका सांग, मनीस जल्मा सावन आतां मेरेन घश्टे कित्याक काडटा?

साक्षीदारः ऑफकोर्स, पयशे मेळोवपा खातीर.

सुजीत : मागीर हुशार बुद्धीच्या निर्बुद्ध मनशा, समजा हांवें एकाच फातरान दोन शेवणी मारलीं जाल्यार चुकलें खंय?

साक्षीदारः आनी समज कोर्टाचो निकाल ताचे विरुद्ध लागलो तर? तुजो निर्णय बदलतलो?

सुजीत : तें फाल्यांचें फाल्यां पळोवया. सध्याक सद्ध्य परिस्थितीचो विचार

करुया आनी पावलां मारुया. तूं म्हजें काम करतलो काय ना?

साक्षीदारः हांव म्हजें काम करतलों आनी हांव तातूंत जैतिवंत जातलों हाची पुराय खात्री आसा. मागीर तूं आनी तुजें नशीब, वर्षा आनी वर्षाचें नशीब.

सुजीत : मागीर वचूं हांव? एक खोस मनार घेवन?

साक्षीदारः चल, आवांतांत चल. फाल्यांच्यान एका नव्या नाटकाक सुरवात जावपाची आसा. सगळेंच बदलतलें, रंगमंच बदलतलो, नाटक बदलतलें, संगीत, आवाज, तुजो प्रवेश बदलतलो, तुजी वेशभुशा बदलतली आनी मुखेल गजाल म्हणल्यार तुजी भुमिका लेगीत बदलतली. पूण पळोवपी मात तेच आसतले. नवीन संहितेंत तुका घडये खूब धांवपळ करची पडत, तेन्ना आतां मातसो विसव घे. फाल्यां सावन आड पडपाक वेळ मेळत ना मेळत. चल, म्हाकाय प्लॅनिंग करपाचें आसा. हॉस्टेल खंयचें म्हळें तुवें.

सुजीत : वर्किंग वुमन्स हॉस्टेल, पर्वरी. आनी किदें?

साक्षीदारः नो थॅक्स. चल तूं. न्हीद काड. हांव वर्षाचो माग काडटां. (सुजीत वता.) काळाच्या चक्रांत निमणो हो फारावलोच. काळापरत्वे हें जावपाचेंच. मन घुंवडायतलें तशें हाणें घुंवपाकूच जाय. खूब सपना सजयल्यांत हाणें. पळोवया कितलीं पुराय जातात तीं. हांवूय कामाक लागतां.

(माचयेर काळोख, संगीत चालू आसा. उजवाड येता तेन्ना साक्षीदारा फाटल्यान धवो पड्‌डो आसा जाचेर प्रकाशझोतांतल्यान कांय सांवळ्यो प्रेक्षकांक स्पश्टपणान जाणवपाक जाय.)

साक्षीदारः खूब दिसांनी आमी मेळटात. कशीं आसात तुमी? सुजीताच्या कामाक लागिल्लों न्हय. ताका लागून तुमकां मेळप जालेंच ना. ताचें काम हांवें केलें हां. जमयलें एकदाचें. तुमकां प्रश्न पडला आसतलो, कशें केलें काय हाणें? सादी गजाल न्हय ही. पूण म्हाका ही गजाल सामकी सोंपी. ह्या चलयांचें किदें आसता खबर आसा? आपल्या मनांतल्यो भावना त्यो सोंपेपणान कोणा कडेन व्यक्त करिनात. तांचो मुर्वती स्वभाव मातसो आड येता. आपल्यो भाव-भावना व्यक्त करपाक तांकां एक माध्यम जाय आसता. हांगाय नेमकें हेंच घडलें. हांव माध्यम जालों. पयलीं वर्षा कडेन इश्टागत केली आनी एक दीस (हांगा

पड्ड्या फाटल्यान दोन सावळ्यो दिसपाक जाय. तांचें हातवारें बी सगळें आकृतीबंद जावपाक जाय.) हांवें सुजीताक व्हरून कॅण्टिनांत बसयलो, मागीर वर्षाक व्हरून हाचे म्ह-यांत बसयलें. (हांसत) सुजीताचो चेरो तेंन्ना पळोवपा सारको जाल्लो. घामाघूम उतराची व्याख्या स्पश्टपणान जाणवताली. हांवें आनीक चड वेळ केलो ना. वर्षाक सांगलें, 'वर्षा हो म्हजो...तुजो इश्ट. तूं खंय ताका आवडलां आनी ताका तुजे कडेन लग्न जावपाचें आसा. आतां तुका जर हो पसंत आसा जाल्यार हय म्हण आनी मेकळें जा.' हांवें इतलें म्हळां मात. तें उठलें आनी पळयतां पळयतां नाच्च जालें. हे वटेन सुजीतान बोब मारली आनी म्हणपाक लागलो, 'तुंवें वाट लायली. आतां तें वतलें प्रिन्सिपला कडेन. सोंपलें, सगळें सोंपलें आतां. नो उद्देगपती, नो वर्षापती.' हांवें ताका म्हळें, 'अभिनंदन, काम जालें तुजें.' (फाटल्यो आकृत्यो ना जातात. फाटल्यान काळोख. उजवाड फकत भायर. या .... हूं करीत सुजीत येता.)

सुजीत : तूं हांगा किदें करता? आख्खो गांव सोदलो हांवें तुका. आयज म्हजे खोशयेचो आनीक एक दीस.

साक्षीदार: पूण असो नाच करपाक जालें किदें?

सुजीत : कशें सांगूं??? किदें सांगूं??? (सगळे संवाद नाचतच) खंयच्यान सुरवात करूं??

साक्षीदार: तूं नाच कर हांव चल्लों. म्हाका खूब कामां आसात.

सुजीत : राव रे, आरे म्हज्या काळइश्टा म्हाका नोकरी लागली. आतां हांव राजा आनी तूं ... न्हय ... न्हय... तूं न्हय. हां... वर्षाराणी. वर्षा राणी, हांव राजा.

साक्षीदार: मागीर केन्ना वाजयता बॅण्डबाजा? तुमचें एकदां वाजलें की हांव मेकळों. हे वटेन तुमचेर अक्षदा पडल्यो, ते वटेन हांव दुसरो कंत्राट करपाक मेकळों.

सुजीत : म्हणजे, आमचें लग्न जातकच तूं वतलो म्हाका सोडून?

साक्षीदार: एकदां तुजें लग्न जालें की म्हजे किदें काम?

सुजीत : पूण हांव इतल्यान लग्न जावपाचों ना.

साक्षीदार: आतां आनी वेळ किद्याक? तुका नोकरी लागली न्हय? आतां कळाव

नाका.

सुजीत : म्हजे वयले जबाबदारेचें किदें?

साक्षीदार: तुजेर आनी कसली आसा जबाबदारी?

सुजीत : वेळ येतकच सांगतां तुका. कोण्या एकल्याच्या स्वाभिमानाचो प्रस्न आसा तो.

साक्षीदार: म्हणजें आमचें तोंड इतले बेगीन गोड जावपाचें ना तर?

सुजीत : तोंड गोड करपाक लग्नच करपाक जाय अशें खंय बरयलां? चल, आतांच खंयच्या ब-याश्या होटॅलांत या. म्हजे नोकरेची खोस चियर्स करून मनोवया.

(माचयेर काळोख. संगीत, उजवाड जाता तेन्नां सुजीत टेबला वयल्यो फायली चाळीत बसला.)

साक्षीदार: सुजीताच्या जिवीतचक्राक आतां गती मेळिल्ली आसा. मनभुलयणो वेग आयला. पास जालो, नोकरी मेळ्ळी, मोग मेळ्ळो. आतां लग्न जालें की सॅमीसर्कल पूर्ण जातलें. फुडें पुराय सर्कल. बाबडो आतां जिविताची तिसरी भुमिका वठयता. एका कर्तबगार चल्याची. असो चलो जो जल्माक येतनाच माथ्यार मोटें वजें घेवन जल्माक आयला, काय ताचेर तें लादलां हें मात म्हाका खबर ना. एक चलो... एक मोगी... जिवीतचक्र दोनांय वटांनी घुंवत आसा. घुंगरांचो छमछम आवाज करीत. पळयात कसो कामांत गुंथला तो. ऑफिसांत काम, घरांत काम. हांव तुमकां सांगतां, हो बेगीन वयर सरतलो. कोणतरी आयलो दिसता. आयतारा आनी कोण आयलो काय. अशीं मनशां खूब येतात. हांव संबंद दवरिना. म्हाका किदें करचें आसा अनवळखी मनशां कडेन. हांव फकत एकल्याकूच बरो वळखतां. तें म्हळ्यार वर्षा. आतां हांव हांगा कोनशाक बसतां आनी हो कोण आयला ताची मातशी मजा पळयतां. (सुजीताचो बॉस भितर सरता, पिराय सादारण ४५ वर्सां.)

बॉस : दार उकतें दवरून कसलें काम करता सुजीत?

सुजीत : सर? तुमी? येयात सर, बसात सर. तुमी हांगा कशे किदें?

बॉस : तुजे कडेनूच आयिल्लों. तुका आवडूंक ना. तर वतां हांव.

सुजीत : तशें न्हय सर. म्हाका आफोवचो आशिल्लो ऑफिसांत. येता आसलों

हांव. तुमी किद्याक त्रास काडले. बसात सर.

बॉस : किदें करतालो? फायली सगळ्यो ऑफिसाच्योच दिसतात?

सुजीत : फाल्यां ऑडीट आसा न्हय? वॅण्डराचीं बिलां मातशीं ऑर्डरीन लायतालों. फाल्यां मागीर बरें पडटलें. तांचोय वेळ वाचतलो. मागीर मोटे फॉल्ट मेळ्ळे जाल्यार सुदारपाक बरें पडटलें.

बॉस : वा! सुजीत वा! तुजे सारकींच मनशां जाय आमकां. हांव म्हज्या बॉसाक सांगून तुजें प्रोमोशन बेगिनूच करून घेतां. वयर वयर सरत राव. जा मागीर प्रशासकी मुखेली एक दीस.

सुजीत : थॅन्क्यू सर, तुमची अशीच कृपा आसूं दी म्हजेर. हांव कश्टांक तसो भियेना. हीच पिराय न्हय कश्ट करपाची. सर तुमकां कितें हाडूं पिवपाक बी?

बॉस : नो थॅन्क्स. हांव भायलें शक्यतो टाळटां.

सुजीत : नो प्रॉब्लेम सर. सर म्हजे कडेन किदें काम घेवन आयिल्ले?

बॉस : काम...? हय. आसा एक काम. सुजीत, तुमगेर मनशां कितलीं. हांगा तर कोणूच दिसना.

सुजीत : हो भाड्याचो रूम सर. म्हजे घरचीं सगळीं गांवांत रावतात. हांगा हांव एकलोंच.

बॉस : मागीर त्या दिसा interviewक आयिल्लें चली कोण?

सुजीत : तें म्हजी फियान्सी. म्हजेर एक जबाबदारी आसा. तातूंतल्यान मुक्त जालों की रोखडींच आमी लग्न जातलीं.

बॉस : बरें चली पटयला मरे. फिगर दोळ्यांनी भरून उरता हां. पळयत रावन दिसता.

सुजीत : सर...

बॉस : कांचवेलो? भियेव नाका. तोंखणाय केली म्हूण हांव किदें लग्न जावचो ना ताचे कडेन. लग्न तूंच जा. (सुजीत स्तब्ध) ते दिसा ताका कॅबिना भायर पळयलें आनी दिसलें, हे चलये कडेन फ्रॅण्डशीप करपाक हरकत ना. मागीर आमची भेट केन्ना घडोवन हाडटा. अशें कर, वॅस्टन झोनाच्या सगळ्या वेवस्थापकांची मॅरियटांत आयज मिटींग आसा आनी मागीर डिनर. आयज डिनर ताचे वांगडा करतां.

सुजीत : बरें सर, येता हांव ताका घेवन. पूण बेगीन परत वचपाक मेळटलें न्हय? इकरा उपरांत ताच्या हॉस्टेलाचीं दारां बंद जातात.

बॉस : जावं दी रे दारां बंद. आयज रावूं दी ताका म्हेज वांगडा मॅरियेटान, घेवं दी पांचनखेत्री सूख. हांवूंय घेतां पांचनखेत्री सूख ताचे वांगडा.

सुजीत : सर किदें उलयतात तुमी? तुमचे चिबेक कितें हाड बी आसा काय ना? असलीं उतरां उलयतना तुमकां लज दिसना? तुमची चली कशें तें.

बॉस : चली कशें आनी चली हातूंत खूब फरक आसा. आतां उरली गजाल लजेची. तसो हांव जल्मा सावनूच निर्लज्ज. लज नांवाची गजाल चड वेळ सांबाळून दवरपाची नासता. ज्यो गजाली मोलादीक आसतात त्योच सांबाळून दवरपाच्यो आसतात, कळ्ळें बच्चू?

सुजीत : वर्षा म्हजे खातीर मोलादीक आसा.

बॉस : सध्या म्हाकाय तशेंच दिसपाक लागलां. म्हाकाय तें मोलादीक वस्तू अशेंच दिसपाक लागलां.

सुजीत : पूण तें तुमकां वळखना. मागीर तुमीम अशें कशें म्हणपाक शकतात की तें तुमचे खातीर मोलादीक आसा म्हूण.

बॉस : पूण तूं ताका वळखता न्हय? आनी म्हाकाय बी?

सुजीत : पयलीं सारको वळखलों ना हांव तुमकां पूण आतां सारको वळखूंक लागलां. तुमी तोंडार जितले सादे दिसतात तितले नात. भोळ्यापणाचें रुपडें पांघूरतात तुमी. तुमचे भितर एक स्त्रीलंपट मनीस धुमसत आसा. वासना तुमची भूक आनी बायल म्हळ्यार भोगाची वस्तू अशें तुमकां दिसता. तुमचे परस शेणांतले किडे परवडले.

बॉस : मिस्टर लवंदे, हें तूं म्हाका सांगता? तूं कोण आसलो विसरलो? तुंवूय शेणांतलो किडोच आसलो. भुकेन वळवळपी. हांवें तुका काम दिलें म्हूण सालवार तूं. ना जाल्यार सोर्ती विकत भोंवता आसलो. आयज... आयज... ड्रॉ आयज. तुका किदें दिसता. हांवें तुका नोकरी दिली ती तुजी सर्टिफिकेटां पळोवन. आयज त्या कागदांक कुत्रोय खायना. वशिलो जाय. आसलो तुजे कडेन वशिलो? हांवें तुका नोकरी दिली ती तुज्या त्या त्या शेवण्या कडेन पळोवन. आनीक एक गजाल. हांव तुका नोकरी दिवंपाक शकता तशी खोंटूय मारूंक शकतां. आयज

सगळे एचआर मॅनेजर म्हजे वळखीचे आसात. एक मेल सगळ्यांक धाडीत तर तुका कोणूच लागीं घेवंचो ना. रस्त्यार येतलो तूं. मागीर भोंव ताका घेवन. म्हण पदां. 'ये दुनिया ये महफिल मेरे काम की नहीं.'

सुजीत : थुंकतां हांव तुजे नोकरेचेर. म्हज्या भुजांनी तांक आसा. हांव कसलोय धंदो सुरू करपी. गेले उडत तुमचे ते एचआरवाले. तुमीच म्हणत बसात मागीर पदां 'मिले सूर मेरा तुम्हारा.'

बॉस : चल, तूं जिखलो. नाका म्हाका तुजें वर्षा. आतां मातशें धंद्याचें उलोवया. उद्देगीक मंत्र्याक सॅटल करपाक एमडीन दिल्ले पन्नास लाख तुमी पावयले?

सुजीत : तुमच्याच आदेशा वयल्यान हांवें ते हेडक्लार्का कडेन दिल्ले.

बॉस : हांवें तुजे कडेन पयशे दिल्यात हें सगळ्या ऑफिसान पळयल्यात. तुवें क्लार्का कडेन पयशे दिले हें कोणा मुखार?

सुजीत : तुमीच सांगलें, तो आयज रजेर आसा. पयशे ताच्या घरा पावय म्हूण.

बॉस : लेखी आदेश आसा? आनी हेडक्लार्क त्या दिसा ऑफिशियली रजेर ना. म्हणजे कागदोपत्री हां. मागीर पन्नास लाख गेले खंय? क्लार्क म्हणटा, तुमची आनी ताची भेट जालीच ना. लवंदे, पयशें गेले खंय? सांजेचो एमडीचो फोन येतलो. किदें सांगूं हांव ताका. उलय सुजीत, उलय.

सुजीत : बास्टर्ड, तुमी म्हाका फसयतात. हांव तुमकां सोडचों ना.

बॉस : किदें करतलो? तुजे कडेन कितें पर्याय आसात? फाल्यांचे पेपर वाच. हेडलायन आसतली तुज्या नांवाची. सुजीत लवंदे हाणें भरिल्ल्या ताटांत घाण केली. ५० लाखांची अफरातफर. आनी परवां आनीक एक बातमी. सादी. फकत सिंगल कॉलम. 'लोकलज्जेस्तव सुजीत लवंदेंची गळफास लावून आत्महत्या' आनी मागीर तुजें तें वर्षा म्हणटलें, 'ओ जाने वाले हो सके तो लौट आना.' (सुजीताच्या दोळ्यांनी दुकां) तुजीं हीं दुकां पळोवपाक म्हाका वेळ ना. (वता. साक्षीदार सुजीता कडेन येता. ताचे फाटीर हात दवरता.)

साक्षीदार: सुजीत, आतां तुजो स्टॅण्ड किदें? किदेंय जावं पूण वर्षाक भकीक घालूं नाका हां. हीं तुजीं प्रस्नचिन्नां. तुवेंनूच सोडोवपाचीं.

सुजीत : तूं मातसो ओग्गी बसता? तूं म्हजो गुलाम. हांव सांगतां तितलेंच तुवें

करपाक जाय. ह्या वेळार तरी तुज्यो जाणवायो नाका म्हाका. चल, वर्षाक सांग, मॅरियटांत यो म्हूण. सांग, हांवें सरप्रायझ दवरलां म्हूण.

साक्षीदारः आर यू मॅड? (आड्डता)

सुजीत : shut up, just do what I said (मोट्यान संगीत. ल्हव ल्हव काळोख. उजवाड जाता तेन्ना शांत संगीत चालू आसा. सुजीत एका तोंकाक आनी साक्षीदार दुस-या तोंकाक बसल्यात.)

साक्षीदारः सुजीत, मिटींग सोंपली... तूं, वर्षा आनी बॉस जेवपाक बसल्यांत... सॉफ्टड्रींक घेतनाच वर्षाक घुंवळ येवपाक लागता.... तूं ताका सावरता... बॉस म्हणटा, any problem? If she is not feeling well then take her to our official reserved room. Let's wind up ... तूं ताका रुमांत व्हरता. फाटल्यान बॉस येता.... तुका भायर धांवडायता... तूं तुज्या रुमार धांवत येता...सुजीत तुका येवन एक वर तरी जालें आसतलें...रुमाचें दार लावन तुज्या बॉसान खाटीर न्हिदिल्ल्या वर्षाक खूब वेळ पळयलां आसतलें....चड नशा येवची म्हूण आनीक दोन पेग घेतल्यात आसतले...व्हिस्केचे दोन थेंबे न्हिदिल्ल्या वर्षाच्या ओंठार उडोवन आपल्या ओंठांनी सोंकल्यात आसतले. आनी...

सुजीत : stop it, बंद कर तुजी बडबड. म्हाका कॉमेण्ट्री नाका आनी नाका तुजे कॉमॅण्ट्स.

साक्षीदारः कॉमॅण्ट्री सांगपाक हांव कितें धृतराष्ट्राचो संजय? आनी समजा आयच्या दिसा पुरती कोणेंय म्हाका जर दिव्यदृश्टी दिल्ली न्हय जाल्यार तीं हांव तुका दिवपाचों. फुलावरी नाजूक वर्षाचेर तुजो बॉस किदें किदें प्रयोग करता हें तुका कळटा आशिल्लें. विश्वास ह्या उतराकूच आयज तुवें कलंक लायला.

सुजीत : म्हज्या इश्टा, म्हजी परिस्थिती किदें आसली हें खबर आसलें न्हय तुका? धर्मसंकटांत आशिल्लों हांव. मान्य करता? म्हजे अब्रू खातीर जें करपाक नाका आशिल्लें तेंच केलें हांवें.

साक्षीदारः आतां तुजीं हीं नाटकीं उतरां नाकात. वर्षाच्या जाग्यार ताणें तुजे भयणीक धाड म्हणिल्लें जाल्यार?

सुजीत : तर हांव ताचो जीव घेवपाचों.

साक्षीदारः मागीर वर्षाचो सौदो करतना कित्याक घेतलो ना?

सुजीत : तेन्ना म्हाका म्हजी जापसालदारकी याद जाली. जाणटे आवय बापूय. लग्नाच्यो भयणी, हो रिणांचो दोंगर. म्हाका कितें जाल्लें जाल्यार म्हजीं घरचीं सगलीं वा-यार पडपाचीं. गरिबींत दीस काडल्यात तांणी. म्हजे कडेन दोळे लावन सगळीं आशेन बसल्यांत. आनी हें सगळें जावन लेगीत हांव लग्न वर्षा कडेनूच जातलों.

साक्षीदार: किदें?

सुजीत : हय, आसा तसों हांव परत हॉटेलार वचपी आनी सकाळ जाय मेरेन वर्षा कुशीक न्हिदून रावपी. ताका जाग आयले बरोबर हांव ताका ताजे कुशीक दिसतलों. आमी लग्ना पयलींच सगळें केलें म्हूण घडये ताका वायट दिसत. पूण हांव ताका मनयतलों.

साक्षीदार: आनी ताणें तुजेर बलात्काराचो आळ घालो जाल्यार?

सुजीत : तशें करचें ना तें. म्हजेर विश्वास आसा ताजो.

साक्षीदार: विश्वास सोंपलो. तुंवें सोंपयलो. हांव चल्लों. तुजे सारक्या विश्वासघातकी मनशा कडेन म्हाका एक खीण लेगीत रावपाचें ना. एक दीस खंयच्याय हिजड्याक म्हाकाच विकचो ना म्हूण किदें गॅरण्टी. हरशीं म्हूण तुजो काळोकुट्ट फुडार म्हाका स्पश्ट दिसपाक लागला. वतना इतलेंच म्हणटां, तूं सदांच म्हज्या यादींनी उरतलो. एक दलाल म्हूण. (माचयेर काळोख, उजवाड जाता तेन्ना वर्षा एका तोंकाक आनी सुजीत एका तोंकाक. कांयवेळ शांतताय. फकत संगीत तितलेंच आयकूंक येता. सुजीत परतून वर्षा कडेन वचपा खातीर पावलां मारता.)

वर्षा : सुजीत, थंयच राव. म्हजे लागीं येवं नाका. तुजो वास लेगीत नाका म्हाका.

सुजीत : वर्षा, म्हाका उलोवं दी. तुकां वेंगेंत घेवन रडपाचें आसा म्हाका.

वर्षा : रड तूं. पूण आसा थंयच रावून. लागीं येवं नाका. तूं रडटना कसो दिसता तें म्हाकाय पळोवपाचें आसा.

सुजीत : वर्षा, पूण लग्न हांव तुजेच कडेन जातलों. जें किदें जालां तातूंत म्हजी पुराय चूक ना.

वर्षा : कित्याक स्वताक सावरपाचो यत्न करता. काकळूट येवपाक लागल्या म्हाका तुजी. ह्याच कामा खातीर मोग केल्लो म्हजेर. अफरातफर

तुंवें केली आनी ख्यास्त म्हाका किद्याक?

सुजीत : हांवें एका रुपयाचो लेगीत अपहार केल्लो ना. म्हाका फसयला. म्हाव ब्लॅकमेल केलो ताणें.

वर्षा : म्हाका किद्याक सांगलेंना तुंवें? आनी सांगतलो तरी कसो? (स्वताच आवाज चडोवन नाटकी भाशेन) come on Varsha, you have a appointment today. You have to sleep with my boss toda (हांसता) सुजीत, तुजें नशिबूच खोटें. आयचे पेपर वाचले? वाच तुज्या बोसान म्हाका थंय सांगिल्लें, तो तुजेर हरशीं म्हूण पुलीस के करपाचोच आसलो. ताचें एक रूप तुंवें पळयिल्लें. एक नाटक तुव कळिल्लें. केन्ना तरी रागाच्या भारार तूं तुजें तोंड उघडशीत म्हूण ता तुका सोंपोवपाचें थारायिल्लें. देखुनूच ताणें पुलीसकेस केल्या. तु पन्नास लाखांची अफरातफर केल्या म्हूण. कांय खिणां भितर पुली येतले हांगा. उण्यांत उणो पांच वर्सां तरी उरतलो कादयेंत. मागी रंगय तुजीं म्होंवाळ सपनां त्या चार वणटीं भितर. वाच पेपर, वा तुजी बातमी. (सुजीताक पेपर दाखयत) आनी ही पळय म्हजी बातमी

सुजीत : म्हणजे, पेपरवाल्यांक कळ्ळें सगळें. तुजे बाबतींत आमी केल् कारस्थान?

वर्षा : ती बातमी फाल्यां येतली. आयजी बातमी तुका मालामाल करप आसा. कोर्टान चलपी केस जिखलें हांव. कोट्यांधीश जालां हांव बाबाचे सगळे वेवसाय आतां म्हजे. हांवें तुका येदोळ म्हळें न्हय, फुटक्या नशिबाचो. आयज तूं लेगीत कोट्यांधीश जावपाचो. पू आतां कांय खिणां भितर रस्त्यार येतलो. Bad luck Sujit, bad luck

सुजीत : हांव सोडचों ना त्या नालायकाक. आपले वासने खातीर म्हज्य जिविताचो खेळ मांडपी त्या मनशाक जितोच मारतलों. हरशीं म्हू अफरातफरीची बंदखण आसाच. हांव ते बंदखणीन हाल काडटले आनी हो हिजडो नव्या नव्या चलयांक खेळयत रावतलो. सोंपयतां ताका. (वचपाक पावल उबारता.)

वर्षा : खंय वता? हॉटेलार? काय घरा? हांवें तुकां येदोळ म्हळें न्ही, एव बातमी फाल्यां येवपाची आसा. हांवेनूच खून केला ताजो. इतल्या थंय लेगीत पुलीस पावले आसतले म्हाका धरपाक. तुका प्रस्न पडल

आसतलो न्हय, हांव इतलें सादें भोळें. कसो मारलो ताका आनी इतलो धीर खंयच्यान आयलो म्हज्यांत. हांव बेशुद्ध आसतना ताणें म्हजे उघडे कुडीचें मोबायल रिकोरडींग केल्लें. आपल्या चे-याचेर तुवालो बांदून म्हजे वांगडा जें जें किदें केल्लें ताचेंय रिकोर्डींग केल्लें. ताची इत्सा आसली, हांवें खंय सदांच ताची सेज सजोवपाक जाय. घातली खुर्ची तकलेर. खंयच्यान बळगें आयलें खबर ना.

सुजीत : म्हणटकच आतां तुका लेगीत ख्यास्त जातली? किदें कर्मभोग हो. पळयलें वर्षा, नियतीक लेगीत आमी दोगांय वांगडाच राविल्लीं ज़ाय. म्हूण दोगांकूय वांगडाच बंदखण.

वर्षा : shut up, म्हाका पोंजड्यो गाळी येनात. नाजाल्यार शिंवर करतां आसलें तुजेर. हांव बुद्द न्हय. हें पळय ताच्या मोबायलाचें मॅमरी कार्ड. पुलिसांक सांगतलें, जें किदें हांवें त्या वेळार केलें. जावं तो मागीर खून तो त्या वेळच्या घडणुकेचो विस्फोट आसलो. आनी आतां हांव दुडवांकार जालां. ब-यांतलो बरो वकील काडून निर्दोश सुट्टलें. तूं बस निराश जखमे वयल्यो खपल्यो काडीत. अश्वत्थामा सारको. (ल्हव ल्हव काळोख, भायर पुलिसांच्या सायरनाचो आवाज आनी मागीर पुलीस धांवपाचो आवाज. निमणो पड्डो पडटा.)

—सोंपता—

तरणाटो १ :

तरणाटो २ :

चोंब्यांतलो १ :

प्रस्नचिन्नां सासणाचीं

(खंयच्याय रस्त्याकुशीकचो वा लोकांचो राबितो नासता अशें ठिकाण. एक तरणाटो मायलस्टोनाचेर सोरो पियेत बसला. दुसरो ताका पळयत धांवत येता)

तरणाटो २ : आरे पापया सोड तो सोरो. ह्या सो-यान अजून मेरेन कोणाचेंच बरें केल्लें ना. आनी ह्या फुडेंय करचो ना. पियेवपाचेंच आसत तर दूद पिये, आडसराचें म्हौंवाळ उदक पिये. जिवाक घटसाण येतली. सोरो पियेवन किदें साध्य करपाक सोदता? पयशांचे पयशे काबार करप आनी जिवाक लेगीत करपूण उडोवप. समाज लेगीत तुच्छतायेन पळयता बेबद्या कडेन. सोरो म्हळ्यार मनीस जातीक लागिल्लो एक शाप. पुराय संवसार जेन्ना ह्या शापांतल्यान मुक्त जातलो तेन्नाच देवाचें राज्य हे धरतरेचेर येतलें. सोड तो सोरो. सोड.

तरणाटो १ : आयलें, संवग आयलें. ब-या वेळार आयलें. वदळच्यान झाडां-पेडां कडेन खबरी करतालों. म्हज्यो सगळ्यो वेदना सदचे भशेंन ताका सांगतालों. तिवूंय बाबडीं म्हज्या दुख्खांत सदचेवरी सामील जाल्लीं आनी अशा वेळार हें संवग आयलां. तूं कोण रे म्हाका सोरो सोड म्हणून सांगपी?

तरणाटो २ : तुजो इश्ट, तुजो भाव, काकूळटायेन सांगपी तुजो बापूय समज.

तरणाटो १ : म्हजो बापूय? (मोठ्यान हांसता) भाव म्हाका नाशिल्लोच. इश्ट म्हाका ल्हव ल्हव पयसावले. हांव पयशे मागतां म्हूण. आनी म्हजो बापूय. शक्य ना, कशेंच शक्य ना. म्हज्या बापायन म्हाका केन्नाच सागलें ना सोरो सोड म्हूण.

तरणाटो २ : म्हण्टकच तुका म्हणपाचें आसा, तूं सोरो पियेता. गांवार हेडटा आनी तुजो बापूय उकत्या दोळ्यांनी पळोवन वोग्गी रावता? सो-या खातीर तुजो बापूय तुका प्रोत्साहन दिता अशें तुका म्हणपाचें आसा? असलो कसलो बापूय रे तुजो? ना काळीज ना भावना.

तरणाटो १ : (हांसता) पिसो, साप्प पिसो. इश्टा, ताचें किदें आसा खबर आसा? हांव सोरो पियेतां हें म्हज्या बापायक खबरूच ना.

तरणाटो २ : सो-याचो घमघम ताच्या नाकांत वचना तर? तुजे दोळे पळय मरे भायर आयल्यात. कोणूय सांगत तूं बेबदो म्हण.

तरणाटो १ : ताचें किदें आसा खबर आसा? ज्या दिसाच्यान हांवें हे बाटलेक तोंड लायलें म्हणजे बाटलेनूय म्हज्या तोंडाक तोंड लायलें हां, त्या दिसाच्यान हांवें घर सोडलें, म्हणजे घरान म्हाका सोडलो. हांव पयस खुब्ब पयस. ताच्याय पयस म्हजें घर. घर म्हाका वळखना. हांव घराक वळखना. मागीर तूं म्हाका सांग इतल्या पयस म्हज्या तोंडाचो घमघम म्हज्या बापायक कसो येतलो. ताका कशें कळटलें हांव सोरो पियेता म्हूण. समजलें? ना समजुचें. हे अशेंच जाता. हांव लोकांक किदें सांगतां तें लोकांक कळचना. तूं बस हांगा. हांव चल्लों. (झाडांक पळोवन) ओके गुलमोहर काका, बाय बाय ताळखिळ्या बाब, बाय बाय.

तरणाटो २ : खंय वता?

तरणाटो १ : तुका किद्याक ? मसणात वतां हांव.

तरणाटो २ : पूण म्हाका तुजे कडेन काम आसा.

तरणाटो १ : म्हजे कडेन काम? कसले काम? टेबलां पुसपाचें, गाडयांचे हारशे साफ करपाचें, आंटीचे ग्लास धुवपाचें? म्हजे कडेन कसलें काम. हांव न्हय मिनिस्टर. न्हय हांव मिनिस्टरालो पिए, न्हय हांव सिएनसी.

तरणाटो २ : हें सिएनसी खंयच्या पुस्तकांत वाचलें ना.

तरणाटो १ : सिएनसी म्हळ्यार चमचो इन चीफ. सगळ्या चमच्यांचो चीफ. मोठो दवलो म्हळ्यार चलता. हांव कोण न्हय. न्हय हांव कोणाचो.

तरणाटो २ : पूण तूं म्हजो इश्ट. अशें हांव मानतां.

तरणाटो १ : इश्ट, मित्र, यार, दोस्त. 'दोस्त दोस्त ना रहा.. प्यार प्यार ना रहा. जिंदगी हमे तेरा येतबार ना रहा.' म्हाका खंय आसा दोस्त. कोण आसा जो अभिमानान सांगू शकता, तो म्हजो इश्ट. अभिमानान नाकाच तुच्छतायेन सांगपी एकतरी दाखय, जो म्हाका इश्ट म्हणूंक शकता. म्हाका फकत एकूच दोस्त, यार (बाटलेक हड्ड्या

कडेन व्हरता) माय फ्रॅण्ड. गूड एण्ड लव्हली फ्रॅण्ड. एण्ड माय लक्की फ्रॅण्ड. तुका खबर आसा? पयलीं ग्लास, प्लेटी धुवन दिले उपरात आण्टी म्हाका एक पाव काजू दितली. तें लेगीत शटर सकयल काडून. एक दीस ही म्हाका अशाच तुज्या सारख्या बेबद्यान...

तरणाटो २ : म्हाका बेबदो किद्याक म्हळो तुवें? (काचाबूल)

तरणाटो १ : तू बेबदो न्हय मरे? मागीर सोडून दी तर. दिल पे मत ले यार. तर हांव सांगतालों म्हाका एकट्यान ही भरिल्ली बाटली दिली तेच रातीक हांवें ती सोंपयली. सकाळीं चूळ भरपाक एक थेंब दवरलो. दुसरे दीस दनपारां हे बाटलेन म्हाका एक आयडिया दिली. कसली सांग?

तरणाटो २ : कसली?

तरणाटो १ : गिरायकाचे ग्लास धुवपाक आयले म्हणटकच हांव ग्लासांतलो उरिल्लो सोरो बाटलेंत भरपाक लागलों. रम वीथ कोक आसा? ओंत बाटलेंत, व्हिस्की वीथ सोडा आसा? ओंत बाटलेंत. बियर आसा? ओंत बाटलेंत. बाटली पुराय भरता. रातभर मागीर हांव मल्टीब्रॅण्ड जातां. (हांसता) मात्सो सरळ उबो राव. तुजे नदरेंत म्हाका एके तरेचो वखवख दिसपाक लागला.

तरणाटो २ : कसलो वखवख? हांव तर हांगा निर्मळ मनान येयलां तुका म्हजो इश्ट करून घेवपाक.

तरणाटो १ : तुवें ख-यानीच थारायलां म्हजो इश्ट जावपाचें

तरणाटो २ : हंय. ख-यानीच

तरणाटो १ : मागीर तुजी परिक्षा घेवची पडटली. म्हजी पिशेपणां तुका सोंसचीं पडटलीं. आसा तयारी?

तरणाटो २ : कसलीं पिशेपणां? पूण हांव तयार आसां. सांग किदें किदें करपाचें?

तरणाटो १ : यू आर रेडी, दॅन आय अम आल्सो रेडी.. हें पळय, तूं म्हजो चलो. कपलाक मिरयो किद्याक? तूं म्हजो चलो अशें समज. तुका बापूय आसा?

तरणाटो २ : हय आसा.

तरणाटो १ : तुजेर मोग करता?

तरणाटो २ : पयलीं करतालो. आतां करिना.

तरणाटो १ : आतां करिना मरे? बरें जालें तर. म्हाका जाय तशें संवग मेळ्ळे नाटकाक सुरवात करुया न्हय?

तरणाटो २ : कसलें नाटक? म्हाका कांयच कळ्ळें ना. म्हजो मात्सो गोंदळ जाला

तरणाटो १ : आरे वदळ हांवें तुका सांगलें न्हय, तुजे नदरेंत म्हाका वखवख दिश्टी पडली म्हूण. तीच वखवख हावेंन कांय वर्सां पयली म्हज्या बापायच्या दोळ्यांनी पळयल्ली. तुका म्हाका अभिनय करून सगळें दाखोवपाचें आसा. जिवितांत तूं केन्ना पास जाला. म्हणजे परिक्षेंत हां!

तरणाटो २ : हय.

तरणाटो १ : किदें पास जाला?

तरणाटो २ : हांव बी. कॉम. वा! वेरी गूड. म्हाका जाय तोच मनीस तूं. पिशेपणां बरींच रंगतलीं. पास जाले बरोबर तूं खोशयेन नाचलो आसतलो. कॉलेजींत सगळ्यांत चड मार्क आशिल्या कारणान सगळ्यांनी तुजे कडेन कवतुकान पळयलां आसतलें. एक शीम हुपली हाची खोस तुवेंनूय मनयली आसतली. तेच बरोबर तुज्या बापायन लेगीत तुजे बद्दल खूब कितें चितिल्लें आसतलें? बरोबर न्हय? आतां अशें कर काळ नांवाचो पड्डो पिंजून मात्सो फाटीं सर. पास जातकच तुवेंन जें जें केलें तें तूं कर. तुज्या बापायन जें किदें केलें तें हांव करतां. चल सुरू करुया. (तरणाटो १ घांट मारिल्ल्याचो अभिनय करीत तीन फेरयो मारता.)

तरणाटो २ : हे तुवें किदें केलें?

तरणाटो १ : ह्यो घंटा. तीन घंटा मारले बगर नाटक सुरू जायना न्हय. चल तूं रिझल्ट घेवन यो. हांव हांगा बसतां. (तरणाटो भायर वता आनी धांवत येता. तरणाटो १ कुशिकूच पडिल्लो कागदाचो कुडको घेवन पेपर वाचिल्ल्याचें नाटक करता)

तरणाटो २ : आबो! ये आबो! हांव पास जालों. कॉलेजींत पयलो आयलां.

तरणाटो १ : बरें जालें पुता. रवळनाथ पावलो रे बाबा अशीच कृपा दवर गे शांतादुर्गे. जें घडटा तें सगळें बरेंच घडूं दी. होंटी केन्ना चुकयचों ना. (पुताक) मागीर तुवें आतां फुडें कितें करपाचें चिंतलां?

तरणाटो २ : आबो! सर म्हणटा, हांव हुशार आसां. हांव फुडें गोंय विद्यापीठांत

वतां. पोस्ट ग्रॅज्युएट जातां.

तरणाटो २ : तुका आवड आसा थंयच चल. तुज्या सरान तुजें बरेंच चिंतलां आसतलें. पोस्ट म्हळ्यार सरकारी खातें हें हांव जाणा. अशेंच कर. सांग रे, कितलो पगार मेळटलो थंय? तूं कॉलेजींत पयलो आयला म्हणटकीच हेरां परस तुका चड मेळपाक जाय हातूंन दुबाव ना.

तरणाटो१ : आबो थंय कसलो पगार? पोस्ट ग्रेज्यूएशन म्हळ्यार उंचेलें शिक्षण. एम. कॉम. नोकरी न्हय.

तरणाटो १ : (ताका रागान पळयत) किदें? आनीक फुडें शिकता. आरे लोकाचे भुरगे धावी जावन कामाक लागले. कांय जाण बारावी जावन कामाक लागले. तेन्नाय तुवें हेंच सांगिल्लें, फुडें शिकतां म्हण. आतांय तेंच. आतां म्हजें एकूच सांगणें. तूं आतां नोकरी कर. खूब शिकयलो हावें तुका. लोकाचे भुरगे जोडून हाडटात. ताचे बापूय आवांतांत बसून खातात आनी हांव आसा अजून, मरतां रगत आटलें तरी. हें पळय, तूं किदेंय कर. शीक नाजाल्यार आनीय किदें कर. म्हाका घरांत तुजी जोड जाय आतां. म्हाका हातांत आतां पयशे जाय.

तरणाटो २ : आबो, अशें किदें करता तूं? तुज्या इश्टाचे भुरगे कितले जोडटात जाणा तूं? ऑपरेटर, हॅल्पर म्हण काम करतात ते. गुलाम कशे वागयतात तांकां तांचे बॉस. कांयच रेशपेद ना. म्हाका रेशपेदान जगपाक जाय. आमचे प्रोफेसर म्हणटात, हांव शिकपाक हुशार आसां. सहजतायेन फस्ट क्लास काडटलो. मागीर खंयचेय कॉलेजींत हांवूंय प्रोफेसर जातलों. म्हजो फुडार पर्जळीत आसा अशे सगळे म्हणटात. म्हाका समजून घे.

तरणाटो १ : तुज्या फुडाराक लाय चुडटी. आयज सगळो काळोख. फाल्यांच्या भरवशाचेर पोटाक मारत आयलां. आयज किदें खावप? कुंडो? तुका तुजे जबाबदारीची मात तरी जाण आसा मरे. तुजे खातीर तुज्या भयणींक चड शिकयल्यो नात. आतां तांच्या लग्नाची जबाबदारी तुजेर आसा खबर आसा? लग्नाच्यो जाल्यो त्यो. तुज्या नादाक लागल्यार आंकवार उरतल्यो त्यो. कितलीं वर्सां जालीं. म्हजे मानेर जूं आसा. कमर बागवली वजें घेवन. शिकलो तितलें खूब जालें. जें किदें शिकला ताचो वापर कर आनी आतां

मात्शें जोडपाक शीक. कर खंयतरी सर्वीस. जी तकली थंय वापरतलो ती जोडपाक वापर. सगळे म्हणटात न्ही, तू हुशार म्हण. पळोवया तुजी हुशारी.

तरणाटो २ : पूण आबो मात्शे पाशियेंस काड. मात्सो चड शिकत तर वर्साक मेळटा तो पगार म्हयन्याक मेळटलो. म्हाका कारकून जावपाचो ना.

तरणाटो १ : तुजें म्हाका कांयच आयकुपाचें ना. हावें कान बंद केले. हांव ठाम आसां.

तरणाटो २ : बरें आबो, पळयतां खंयतरी सर्वीस. बी कॉमाक खाता कोण? पूण तुका समजायतलो कोण?

तरणाटो १ : वाऽऽ वाऽऽ! किदें एक्टींग रे. जीव ओंतून अभिनय.

तरणाटो २ : एक्टींग न्ही आबो, ख-यांनीच सांगतां. नासत तुमची इत्सा तर आसूं ते. हांव आनी म्हजें नशीब.

तरणाटो १ : ए! जाग्यार यो. कानपट्यार फुलयतलों. नाटक सोंपलें. आतां तूं तो न्हय. आनी हांव तूं समजता तो न्हय. आतां हांव हांव आनी तूं तूं. आतां सांग, तुका समजलें? (तरणाटो १ तकली हालयता) किदें? कांयच कळ्ळें ना तुका? घडये तुका म्हजो प्रश्न समजलो ना दिसता. परिक्षेक मुजरत एक प्रश्न आसता. “या कथेची तुम्हाला समजलेली मध्यवर्ती कल्पना स्पष्ट करा.” होच तुका प्रश्न. आमच्या आतांच्या नाटकाची मध्यवर्ती कल्पना स्पश्ट कर. आरे! असो रे कसो बुद्दू तू? आरे! तुका दिसलिना म्हज्या दोळ्यांतली आशा. तुज्या बापायच्या दोळ्यांतली आशा. आपल्या सुवार्थी आनी हटवादीपणाक लागून ताणें म्हज्या फुडाराचो बळी दिलो. म्हजी इत्सा आसली, खूब शिकतलों. पि.एच.डी करतलों. डॉक्टर म्हण मिरयतलों. म्हजो बापूय गरीब नासलो. खूप जमीन आसली ताचे कडेन. पूण आई म्हणटाली, आळशी आशिल्लो तो. ताका दिसतालें, तो शेतांत राबता आनी आमी बसून खातात. हांव शिकतालों पूण ताका दिसतालें, हांव ताच्या पयशांचेर उडणां मारतां. चैन करतां. म्हज्या शिकपा खातीर खर्च केल्लो पयसो ताका जुरा सकट जाय आसलो.

तरणाटो २ : पटलें म्हाका. म्हाका पयलींच कळिल्लें. पूण तुवें तुज्या पोटांतलो सगळो घुस्मट ओंकचो म्हण हांव नाटकां करतालों. म्हाका एक

सांग, तुवें वदळ म्हजे नदरेंत कसली आशा पळयली हें अजून होलमलें ना म्हाका. (तरणाटो १ ताचे कडेन धांवत वचून रागान)

तरणाटो १ : आयकतलो आशाड्ड्या?

तरणाटो २ : ना. नाका. तूं किदेतरी भयंकर उलयता. म्हज्यान आयकू नजं. जे आशेन हांव हांगा आयलां तें म्हजें काम जायत कशे म्हाका दिसना. चल्लो हांव.

तरणाटो १ : हें पळय, होच सुवार्थ, हीच आशा. हेच आशे खातीर आयज मनीस मनशाक वळखना. भाव भावाक वळखना. बापूय पुताक वळखना. तुका चोंय वटेन सुवार्थाचो अणभव येंवक ना.

तरणाटो २ : म्हाका? ना. केन्नाच ना. (कांचाबूल)

तरणाटो १ : आयला. तुजो थरथर सांगता, आयला. तूं भियेता (हांसता) तुजेर बरेंच दडपण आसा. आसूं. यो बस. (बाटली दाखोवन) पियेता? सगळे ब्रॅण्ड मिक्स आसात. (तरणाटो २ धांवत वता)

तरणाटो २ : दी. दी. (ताका सांसपिता)

तरणाटो १ : तुजे कडेन पयशे आसात? पळयता किदें? हांव तुका विचारतां, तुजे लागीं पयशे आसात? मनी, मनी? सोरो फुकट मेळना. स्वास घेवपाक लेगीत दुडू मेजचे पडटात हांगा. प्रत्येक पांवड्यार पयशे. 'पैसा फेको तमाशा देखो'. किदें समजलो? म्हाका हो फुकट मेळ्ळो ना. ते आण्टीच्यो घासल्यो हांवें प्लेटी. धुले ग्लास तेन्ना पदरान पडला. सोरो जांय खंय. धांवत आयलो दी दी म्हण.

तरणाटो २ : पूण हांवें तुजे लागीं मागूक नासलो. तुंवेनूच म्हाका आफयलो. जाय काय विचारले. देखून हांव आयलों.

तरणाटो १ : म्हज्या इश्टा. हिच जगाची फिलोसॉपी. जगान जें तंत्र वापरलां तेंच हांवें वापरलां. हातूंत म्हज्या पदरचे कांयच ना. सगळे पळोवन शिकलां हांव.

तरणाटो २ : तूं प्रत्येक गजाल अशी घुसपावंन किद्याक उलयता? म्हाका कायंच समजना. सगळेंच गोल गोल आनी गोल.

तरणाटो १ : आरे दळड्ि-या हातूंत घुसपावपाची गजाल खंय आसा. हें तर सगळ्यांत सोंपें तंत्र. सगळ्यांत सोंपी फिलॉसॉपी. बेजीक नीड ऑफ लायफ. आनी हिच तुका समजना? तूं जगपाक लायकेचो ना.

तरणाटो २ : म्हाका तुजी फिलॉसॉपी नाका. सारकें सांग पळोवया. कसले मं
आनी कसलें तंत्र?

तरणाटो १ : सांगतां. सगळें तुका समजतलें अशें सांगतां. हांव तुका सांगतालो
हो संवसार यो म्हण आफोवणें धाडटा आनी जीव खर्शेवन कोणू
धांवत गेलो की ताका ना म्हणटा. होशी मॅर म्हणटा. म्हाका
फटयलो खूब लोकांनी. नोकरी दिता म्हण आफयलो. हांव फायल
सांबाळत धांवत खर्शेत गेलों जाल्यार मागीर धांवडावन घालो
घुस्पलो? तुका थियरी नाका. थियरी भितर मात्सो वीक तूं
जमपाचें ना तें तुका..तुका प्रॅक्टीकल करून दाखयतां. तूं केन्न
इंटरव्हीव गेला? सांग, बेगीन सांग.

तरणाटो २ : (निर्शेत) हय, एकदां आनी दोनदां न्हय. खूब फावटीं. आय वॉस
रॅगुलर.

तरणाटो १ : गूड. वॅरी गूड. म्हणजे तुका बरोच अणभव आसा. नाटक बरेंच
रंगतलें. नाटकांत कितलींय मोडणां येवं. तूं पेलतलो तीं. आतां तूं
(चिंतता) एक पदवीधर तरणाटो आनी हांव मॅनेजर. संचालक,
सरव्यवेस्थापक आनी सगळे कोण कोण ते. (घंटा मारपाचो
अभिनय करता आनी उंचवट्यार बसता. तरणाटो २ केंस सारके
करीत येता.)

तरणाटो २ : मे आय कम इन सर? सर हांव भितर येवं?

तरणाटो १ : यो, यो. प्लीज सीट.

तरणाटो २ : सर हांवें तुमची जायरात वाचली.

तरणाटो १ : तुवेंनूच न्हय, खूब लोकांनी वाचली. वाचपा खातिरूच छापिल्ली
आमी ती. भायर पळयलां तुवें कितले जाण केंसांक भांग काडून
आयल्यात ते. कितली म्हण बेकारी. सरकार किदें करता देवाक
खबर. तें सोड, चल तुजे इण्टरव्ह्युक सुरवात करुया. तुजें नांव?

तरणाटो २ : म्हजें नांव वसंत.

तरणाटो १ : आरे! मात्शें मोठ्यान सांग. लज नाका आनी भियेवं नाका. घडये
तुजो हो पयलो इण्टरव्ह्युव आसत. कांय नजो, म्हातारो जाय मेरेन
सुदरतलो तूं. सांगता न्ही.

तरणाटो २ : किदें?

रणाटो १ : तुजें नांव.

रणाटो २ : हांव वसंत सावंत गांवकार.

रणाटो १ : गांवकार? लकी नांव. म्हणजे म्हजे खातीर. ताचें किदें आसा जाणा? हांव जेन्ना शाळेंत शिकतालों तेन्ना आमकां गांवकार नांवाचो मास्तर आसलो. गुरुजी हां. अभ्यासांत म्हजी गती जेमतम. पूण बापूय सरपंच. ताजो वट चड. गुरुजी लेगीत भियेतालो. अभ्यास कर, ना कर. पयलो नबंर म्हाकाच मेळटालो. तें सोड, तुजें शिक्षण?

तरणाटो २ : बी कॉम. सर. फस्ट क्लास मेळ्ळा.

तरणाटो १ : बी कॉम. पुरो आसले. फस्ट क्लास म्हूण सांगपाची गरज नाशिल्ली. जाता किदें, अशी कोणेय क्लास सांगली न्ही की म्हाका बेठेंच घाव्याचेर मीठ चोळिल्ले वरी जाता. बरें, तुजी पर्सण्टॅज?

तरणाटो २ : ७२ सर .

तरणाटो १ : किदे? सॅवॅण्टी टू? म्हाका तीन वर्सांची अधीक करुनूय इतली मेळ्ळिना मरे. आनीक एक गजाल, होवूय आंकडो म्हजे खातीर लकी हां. ताचें किदें आसा. हांव टि. वायचे परिक्षेक बशिल्लों न्ही तेन्ना म्हजो सीट नंबर आसलो ७२. हांव फकत प्रश्न वाचतालों. सुपरवायजर जापो सांगतालो. पूण तेन्ना म्हजो बापूय शिक्षणमंत्री आशिल्लो. सरपंच टू शिक्षणमंत्री. (हांसता) तें सोड, आमकां जाय तशे सगळे गूण तुजे भितर आसात. मुखेल म्हळ्यार तूं आमच्याच समाजाचो. ही नोकरी तुका दिवपाक म्हजी कांयच हरकत ना. (इतल्यान फोनाचो आवाज. फोन कानाक लायिल्ल्याचो अभिनय) शुभ शगून तुजे खातीर. रोखडीच घंटा वाजली. तूं बस हांव उलयतां. हय! हय! हांवूंच आसां फोनाचेर. कोण? सी. एम. उलोवंक सोदता? दी. दी. (कांय वेळान) हां सर. गूड मॉर्निंग सर. कशे आसात? आमी तुमचे कृपेन काडटात दीस. शाळा चल्ल्या बरी. पापान परमिशना दिल्ली न्ही तेन्ना. एम. बी. बी. एस सुरू करचें म्हणटां... किदें म्हणटात? जातले काम ओके. सर. विसरिल्लों. तुमी किद्याक येतात. फोन आसाच. आमच्याच समाजाचो एक भुरगो. शिकलाय बरो... मार्कय बरे... (हांसता) किदें तुमी सोदून काडला?

पूण आमकां जाय तें सगळें आसा न्ही ताचे कडेन? किदे? ताचे

कडेन न्हय. तिचे कडेन? म्हणटकीच बायल मनीस... बरें चली?... बरें बरें.. सर किदें नवीन भानगड? हय सर. येवचो ना न्ही? सॉरी सर.. तुमकां जाय तशें. पूण तें एम. बी. एचें मात्शें पळयात हां दवरतां.. हय सर... बरें सर.. हय सर.. (फोन दवरता. तरणाट्या कडेन पळोवन) जण्टलमॅन, तुजी इण्टरव्ह्युव सोंपली. तुका आमी पत्रान कळयतात. ओके.

तरणाटो २ : पूण सर, तुमी म्हाका कांयच विचारलें ना. दोन शब्दां भितरली कसली ही इण्टरव्ह्युव? आनी ती कोण?

तरणाटो १ : तो मंत्री म्हजो मेवणो आनी ती आसा पळय ती म्हजी बायल आनी मि. गांवकार स्वताक सवंय लावन घे. हाचे फुडें खूबशो मुलाखती अशोच आसूं येतात. मागीर फ्रस्ट्रेशन बीन जायत तुका. मनाची तयारी कर. ह्यो शॉर्टकट मुलाखती. मॉर्डन त्यो. सिग्नल पडटकच बंद जातात. तूं चल. तुका आमी पत्रान कळयतात.

तरणाटो २ : उपकार करून बंद कर हें नाटक. म्हाका वीट आयला तुमच्या सगळ्यांची. नाटका, सगळीं नाटकां. फकत पात्रां बदलतात. आशय मात तोच उरता. तीच ढोंगीपणा. तोच फटींग वेव्हार. म्हणून म्हणटां पुरो कर, बेबद्या पुरो कर.

तरणाटो १ : कोणाक बेबदो म्हणटा तूं? कोणाक? म्हाका? खबर आसा हांव कोण तो? संचालक ऑफ.. (तरणाटो २ ताच्या आंगार धांवून वता)

तरणाटो २ : ये दळडि-या, पुरो कर. सांगलें न्ही नाटकां पुरो म्हण. आतां तूं तो संचालक न्हय आनी हांव तो कपलफुटको उमेदवारूय न्हय. तुवें जो आभास तयार केल्लो ताचे वयल्यान कळ्ळें म्हाका, तुका किदें सांगपाचें आसा तें. असलीं नाटकां प्रत्यक्षांत खूब फावटीं केल्यांत हांवें. खूब येसायो मारल्यात.

तरणाटो १ : शी! काय बरो क्लायमॅक्स वगडायलो. हांव समजिल्लों तूं प्रतिकार करतलो, आव्हान दितलो म्हज्या निर्णयाक. पूण शी! तुवें नाटकूच बंद उडयलें. क्लायमॅक्स येवपाक नाटक बंद.

तरणाटो २ : उबगण आयल्या म्हाका ह्या असल्या गजालींची. सकाळीं बेगीन उठप. आशेन भायर सरप, तरा तरांची संवगां पळोवप, तांची तींच नाटकां पळोवप आनी घरा येवप. वीट आयल्या, वीट म्हाका.

तरणाटो १ : इतल्यानूच उबगण आयली? अजून तुवें पळयलां तरी किदें?

अजून तरणाटो आसा तूं. मनशान म्हातारो जाय मेरेन आशा सोडची न्हय. जाणटो जाय मेरेन वाट पळोवची. मजा येता.

तरणाटो २ : तितली शक्त ना म्हज्यांत. दिसता जीव दिवचो. सोंपोवची हे कुडीक. सगळीं म्हणटात म्हाका, हांव खंय मात्सो सॅणटिमॅण्टल. जीव दितलोंच हांव.

तरणाटो १ : शी! शी! अशें करिनात. अशें उलोवप हें लेगीत पाप. देवान दिल्लो जीव पेड्यार करपाक तुका कोणें अधिकार दिला?

तरणाटो २ : मागीर तूं तरी किदें करता? सोरो पिवन तुवें तरी खंय दवरला जीव तुजे कुडींत? श्वास घेता म्हण मनीस तूं. लिवर फुटून वाद-यो जाल्यात आसतल्यो.

तरणाटो १ : (रागान) ये, तुका सांगतां हांव. म्हज्या पर्सनल जिवितांत येवं नाका. म्हजें खाजगी आयुश्य हें म्हजें आसा. हांव तें म्हाका जाय तशें जियेतलों आनी जाय तशें पियेतलों. तुका कांयच लागना.

तरणाटो २ : मागीर म्हजेंय तुका कांयच लागना तर.

तरणाटो १ : मागीर चल तर. दी जीव. मर एकदासो. म्हजे बाटलेंत पयले धारेचो सोरो आसा. तुजें मडें लासपाक पुरो जातलो. घसा घसा ओंतता तुज्या मड्यार.

तरणाटो २ : सोरो असो उडोवं नाका. असो जळोवचो न्हय तो कोणायच्या मड्याचेर. तुका नाका जाल्यार म्हाका दी. म्हजें काम आसा ताजे कडेन.

तरणाटो १ : सो-या कडेन काम? सोरो म्हणजे किदें आमदार रे? सो-या कडेन काम नासता. सो-या कडेन संबंद दवरपाचो आसता आनी संबंद दवरप म्हळ्यार किदें खबर आसा? दवरूंक ना केन्नाच कोणा कडेन संबंद? संबंद दवरप म्हळ्यार हे बाटलेक मोगान वेंगेंत घेवप, तिच्या तोंडाचो किस घेवप आनी मागीर हळूच तिच्या तोंडांत आपलें तोंड घालप. आनी पोटभर रस पिवप. रस म्हळ्यार सोरो हां. पुराय पिवन जातकच बाटलेक खोंट मारप आनी पयस करप. परत केन्नाच लागीं करची न्हय ते बाटलेक.

तरणाटो २ : हांव करूंक तयार आसां.

तरणाटो १ : किदें तें?

तरणाटो २ : हेंच तूं सांगता तें. संबंद दवरप. तोडांत तोंड घालून म्हाकाय सोरो पिवपाचो आसा.

तरणाटो १ : म्हाका नेटान मुतपाक जालां.

तरणाटो २ : तूं म्हजीं फकांडां मारूं नका. म्हजे सहनशक्तीचो अंत पळयता तूं.

तरणाटो १ : हो अंत कोण? वाड्या वयलो अंता खबर आसा. आंतोन खबर आसा. हो अंत कोण? आनी म्हाका तो कसो दिश्टी पडना तर? तें सोड, तुका सोरो किद्याक जाय?

तरणाटो २ : तूं किद्याक पियेता?

तरणाटो १ : मनोरंजन, मजा, जिवनाचो अर्क 'इस शराब से मजा आता है दोस्त.' जेवपाक जायच अशें काय ना. एक बाटली सोरो पिये. मजेन राव. भूक नाच्च जाता. आगांर कपडे जायच अशेंय ना. लोक बेबदो म्हणटात आनी सोडून दितात. लक्षच दिनात आमच्या बोतरां कडेन. आमचे सारकोच एकादरो बेबदो मेळटा. मागीर तोच विचारपाचें धाडस करता. कपडे पिंजल्यात मरें! मागीर आमी ताका विचारतात, तुका सांगतां वाटसु-या, खरी जीण म्हणटात पळय ती सो-या उपरांतची. कसलीच पर्वा ना. कसलेंच टेन्शन ना.

तरणाटो २ : ही म्हज्या प्रश्नाची जाप न्हय.

तरणाटो १ : किदें तुजो प्रश्न?

तरणाटो २ : तूं सोरो किद्याक पियेता?

तरणाटो १ : हांव सोरो किद्याक पियेतां? (हांसता) हय मरे, किद्याक पियेता हांव? ना सांगचो ना. म्हाका पयलीं सांग, तुका सोरो किद्याक जाय? तुजी बायल पळोन गेली, काय तुज्या घराक उजो लागला?

तरणाटो २ : म्हज्या संवसाराक उजो लागला?

तरणाटो १ : तुका मरे लागलां वारें.

तरणाटो २ : कसलें वारें?

तरणाटो १ : हेंच. कोड्यान उलोवपाचें

तरणाटो २ : हें कोडें न्हय. खरेंच म्हज्या संवसाराक उजो लागला. हांव हुलपलां त्या उज्यान. नशिबाचो उजो उजो जाला.

तरणाटो १ : पालोवपाचो यत्न किद्याक करिना?

रणाटो २ : सगळो गोबर जाला. पालोवन कांयच उपेग ना. बेठोच गोबर आंगार उसळटलो.

रणाटो १ : तुवें म्हजो सगळो सोरो निवळायलो हां! सारकें सांग मरे पापया.

रणाटो २ : सांगतां, सगळें संगता. मागीर म्हाका सोरो मेळटलो न्हय?

रणाटो १ : एकशे धा टक्के हय. मेळटलो.

रणाटो २ : आयक तर. तुजे बाबतींत ज्यो गजाली घडल्यो त्योच गजाली म्हजेय बाबतींत घडल्यो. शाळेंत सदांच पयलो. ब-या मार्कांनी बीएससी जालों. फुडें शिकपाचें मनांत खुब्ब आसलें. बापाय कडेन उलोवन लेगीत दाखयलें. पूण बापूय गरीब. कश्टकरी. ताचे विचार म्हाका पटले आनी हांवें थारायलें, खंयतरी सर्वीस करप. काम करतां करतां जाय जाल्यार शिकप. पूण मनाक जाय तशी नोकरी खंयच मेळना. इण्डस्ट्रीयल इस्टेटीनी कनफर्म जॉब, बरे जॉब, भायल्या लोकांक किद्याक तर ते खंय मेहनती आनी आमी गोंयकार खंय आळशी आनी सुसेगाद. आसतुय कोण एक गोंयकार पूण सगळे न्हय. हांगा थंय कॉण्ट्रॅक्टरा कडेन काम केलें पूण लज दिसताली. म्हज्याच कॉलिफिकेशनचो मनीस चाळीस हजार घेता. आनी हांव चार हजार. इतलें करुनूय भोक्यार खोंट आमच्याच. सरकारी नोकरे खातीर भोंवून भोंवून सर्टिफिकेटींची वाट लागली. पूण नोकरी मेळ्ळिना. पूण यत्न करता एकल्या खातीर...

तरणाटो १ : (ताका मदींच तोडीत) एकल्या खातीर म्हणजे कोणा खातीर तें कळ्ळें म्हाका. तूं कोणाचेर तरी मोग करतालो. तूं ताचेर उपाट मरतालो. उलयतां उलयतां तूं जेन्ना भावना विवश जालो तेन्नाच म्हाका कळ्ळें. तुजें दुयेंस मात्शें नाजूक आसा. तुज्या काळजाक घाये आसात. आनी मोगान शेणटा तो मनीस साप्प पिसो. आरे! आयक रे. आमी अशें करून पळोवया. हरशीं म्हण आमकां किदें काम आसा? कथाकथना परस नाटक बरें जातलें. तूं आसा तयार.

तरणाटो २ : पूण तुका सगळी संहिता खंय खबर आसा तर?

तरणाटो १ : तुज्या दोळ्यांनी पुराय संहिता वाचली हावें. सगळें बरयलां. पूर्ण विराम, सल्प विराम सगळें. तुका खूब आवडटालें तें. ताचे बगर तूं रावपाक शकनासलो.

तरणाटो २ : हें सगळें दिसता तुका म्हज्या दोळ्यांनी? पूण म्हाका केन्नाच हारशांत दिसलेंना.

तरणाटो १ : पिशा, ही संहिता आसा पळय ती युनिवर्सल. हावेनूंय भोगलां तें हावेनूच किद्याक (प्रेक्षकां कडेन बोट दाखोवन) हाणें .. हाणें ... सगळ्यांनी भोगल्या. कांय जाण जैतिवंत जातात ह्या खेळांत. तर कांय जाण अपेशी थारतात. तुजे म्हजे सारके.

तरणाटो २ : तशें जाल्यार वाजय घांट.

तरणाटो १ : ना, हांव वाजोवचों ना. ही घांट तुका वाजोवची पडटली.

तरणाटो २ : तुवें वाजयल्यार किदें जाता?

तरणाटो १ : ह्या नाटकाचो खरो सुत्रधार तूं. हें तुज्या कर्माचें नाटक. तुवें बरयल्लें. (तरणाटो २ घांट वाजयता. तरणाटो १ चली जावन बसला.)

तरणाटो २ : आयज बेगीन शें येवन बसला?

तरणाटो १ : हांगा वेळ कोणाक आसा?

तरणाटो २ : आयज अशें रागार शें?

तरणाटो १ : रागार कोण? रागार जालां म्हजें कर्म. म्हाका सांग, तुका नोकरी लागली?

तरणाटो २ : यत्न चालू आसात. लागतली आयज ना फाल्यां.

तरणाटो १ : म्हणजे आयचे घटकेक लागूंक ना. बरोबर?

तरणाटो २ : बरोबर तुजें

तरणाटो १ : बरोबर किदें?

तरणाटो २ : म्हाका खबर ना.

तरणाटो १ : म्हाका खबर आसा.

तरणाटो २ : किदें तें?

तरणाटो १ : म्हज्या बापायन म्हजें लग्न करपाचें थारायलां.

तरणाटो २ : किदें? तुवें किदें करपाचें थारायला? बापायक हय म्हळें तुवें?

तरणाटो १ : किदें करतलें? दुसरो उपायच नाशिल्लो म्हजे कडेन.

तरणाटो २ : पूण हांवें तुजेर मोग केला ताचें किदें?

तरणाटो १ : राजा, बी प्रॅक्टीकल. सगळ्योच गजाली भावनेचे तागडेंत

जोखपाक जायनात. हरशीं म्हण मोग किद्याक करप? लग्न जावपा खातिरूच न्हय? हांव तेंच तर करतां आतां.

तरणाटो २ : पूण तुजे शिवाय जगप म्हाका घडये जमचें ना.

तरणाटो १ : ल्हव ल्हव जमता सगळें मागीर. तुज्या भरवशार रावलें जाल्यार जिवीतभर आंकवार उरतले हांव.

तरणाटो २ : आगो, पूण म्हाका आयज ना फाल्यां नोकरी लागतली न्हय? मागीर जावया आमी लग्न. बिएस्सी हांव.

तरणाटो १ : आतां खूब कळाव जाला. आतां कांयच जावपाचें ना. (वचपाक लागता)

तरणाटो २ : (ताचे फाटल्यान वचत) आगो! आयक गो! (तरणाटो १ ताका फाटीं ओडटा.)

तरणाटो १ : सर, फाटीं सर. जाचे फाटल्यान तूं धांवता तें म्हजाळ. बेठोच खर्शेतालो.

तरणाटो २ : खूब मरतालों रे हांव ताजेर. ताचे वांगडा संवसार करपाची खूब सपनां पळयल्लीं हांवें. सगळीं मातयेभरवण जालीं. लग्नाक गेल्लों हांव ताच्या. हांव सगळें विसरूंक सोदतां.

तरणाटो १ : तशेंच कर. बरें जातलें. असल्यो गजाली विसरपाकूच जाय.

तरणाटो २ : तेच खातीर म्हाका सोरो दी. म्हाका खूबश्या जणांनी सांगलां, सगलें विसरपा खातीर सोरो खंय रामबाण उपाय. पुराय संवसाराचो विसर पडटा खंय तातूंत.

तरणाटो १ : आरे पिशा. एक कोण गोरे कातीचें चली. तुजो ताचो संबंद आसत घडये दोन तीन वर्सांचो आनी असले नालायक चलयेची याद विसरपा खातीर तुका सोरो जाय. म्हाका पटना.

तरणाटो २ : मागीर तूं किद्याक पिता? सगळें विसरपा खातिरूच न्हय? सगळें सगळे.

तरणाटो १ : हांव वाट चुकलों. म्हाका वाट दाखोवपी कोणूच नाशिल्लो. वाट दाखोवप्यांनीच वाट लायली.

तरणाटो २ : तुजें वाट चुकपाचें कारण?

तरणाटो १ : कारण एकूच. बेकारी. हांव बेकार थवय, बेकारसांड. एज्युकेटेड

बेकार. जीव दिवपाचे लायकीचो अशें म्हजो बापूय म्हाका सदां म्हणटालो. हांव म्हळ्यार पातक. घराण्याचेर कलंक. तुका पळोवपाक जाय म्हजो बापूय कसो आशिल्लो तो? हें पळय, तूं म्हजो चलो, हांव तुजो बापूय. तूं घरा कडेन निराश जावन यो.

तरणाटो २ : ना. नाकात हीं नाटकां. बेजार आयलो हीं नाटकां करून.

तरणाटो १ : आरे! मागीर इतलो तेंप येसाय किद्याक मारतालो तर? आनी तुवें नाका म्हळें म्हणून ही नाटकां जायत रावतलीं. कोणेंय सोंपोवपाचो कितलोय यत्न करूं. घरच्या नाटकाची याद कर. तुका सदां आयकून घेवचें पडटालें. जें तूं करतालो तेंच तुका कर म्हणटां हांव.

तरणाटो २ : पूण हीं नाटकां कितले दीस चलपाचीं? कितलो तेप?

तरणाटो १ : हीं नाटकां सासणचीं. हीं नाटकां न्हय?. हीं प्रस्नाचिन्नां. हीं सुटपाचीं नात. वयल्यान तीं गुणुले जायत वतलीं. जशी लोकसंख्या वाडटली तशीं प्रस्नचिन्ना वाडटलीं. आमी फकत आमच्या वांट्याक आयिल्लीं संवगां करीत रावपाचें. जापो सोदीत रावपाचें. कांय लोकांक प्रस्ना पयलीं जापोय मेळटल्यो. आमी निराश जावप ना.

तरणाटो २ : पूण तुका सांगतां हे नाटक निमणें. आनीक हांव नाटकां करचों ना.

तरणाटो १ : नाटकां करचो ना. पूण संवगां रंगोवचींच पडटलीं. जिवीतरुपी संहिता तुजे खातीर एक तरी रोल दवरतलीच. पार्ट तुका करचोच पडटलो. तुका खबर आसा? आतां जें जातलें तें म्हज्या जिवितांलें खरेंच निमणें नाटक. ह्या नाटका उपरांत म्हज्या जिविताचेंच नाटक जालां. तूं येता न्ही म्हजो चलो जावन?

तरणाटो २ : हय, येतां. तूं तयार राव. घांट मारिना?

तरणाटो १ : ना. सगळ्याच नाटकांक घांट मारचेली नासता. घांट किद्याक मारतात खबर आसा? ना? म्हाका खबर आसा. घांट मारतात लोकांक जागे करपाक. तांकां पटोवन दिवपाक, जें किदें आतां चलतलें तें सगळें फटीचें. भासाभास नाका. चल यो तूं. ऑल द बेस्ट. (बसता)

तरणाटो २ : आई, पेज हाड गे.

तरणाटो १ : पेज मेळची ना.

तरणाटो २ : उदकूय हाड गे.

तरणाटो १ : उदकूय मेळचें ना

तरणाटो २ : पूण म्हाका तान लागल्या.

तरणाटो १ : म्हाका भूक लागल्या.

तरणाटो २ : आबो, तुमी अशे किद्याक करतात?

तरणाटो १ : तूं अशें किद्याक करता?

तरणाटो २ : हांव समजलों ना.

तरणाटो १ : तुका नोकरी लागली?

तरणाटो २ : लागतली.

तरणाटो १ : ही म्हज्या प्रस्नाची जाप न्हय.

तरणाटो २ : अजून लागूंक ना.

तरणाटो १ : शिक्षणाचो उपेग किदें?

तरणाटो २ : आबो, ग्रॅज्युएशनाक कोण खायना आयज.

तरणाटो १ : मागीर शिकलो किद्याक तर? शेतांत जोत हामुडचें न्हय? तुज्या शिक्षणा खातीर अर्दें शेत विकलें हांवें

तरणाटो २ : आबो, म्हाका फकत दोन वर्सां शिकपाक दी. खंयचेय कॉलेजीन प्रोफेसर म्हण नोकरी मेळटली. पांच वर्सां भितर तुजीं सगळीं शेतां परत विकत घेतां.

तरणाटो १ : अजिबात जावचें ना. ते परस बशीचेर कंडक्टर म्हण राव. उपकारता म्हाका. आनी हाचे फुडें तुवें कमयलें तरच तुका जेवपाक मेळटलें. चलूंक लाग (मोठ्या मोठ्यान रडटा.)

तरणाटो २ : तुजो बापूय तुजे यादीन रडटालो काय किदें?

तरणाटो १ : म्हजो बापूय केन्नाच रडलो ना. हो हांवच रडटां. असोच रडिल्लों हांव घरांतल्यान भायर सरतना. हांवेनूय थारायल्लें, त्या घरांत पांय दवरप ना.

तरणाटो २ : तुज्या बापायची म्हण किदें चूक?

तरणाटो १ : म्हणटकच सगळी चूक म्हजीच अशें तुका म्हणपाचें आसा तर?

(भावनावंश जाता)

तरणाटो २ : आसूं. सोड तें. सोड ती नाटकां. नाका तीं नाटकां आनी नाटकाचो सारांश. म्हाका जाय फकत सोरो. जो सध्याक तुजे कडेन आसा आनी म्हजे कडेन ना. म्हाका सगळें विसरपाचें आसा.

तरणाटो १ : तुका सोरो मेळचो ना. कसोच ना. सोरो दुबळो करता. आतां हांवेनूय थारायलां, सोडप हो सोरो.

तरणाटो २ : तूं सोरो सोडटलो? (हांसत) म्हणजे दुकर गूं खावपाचें सोडटलो. (हांसता)

तरणाटो १ : बेठोच हासूं नाका. हांव तशेंच करतलों.

तरणाटो २ : पूण अशें अचकीत जालें तरी किदें?

तरणाटो १ : म्हाका दिश्टावो जाला. ह्या संवसारांत हांव एकलोंच बेकार ना. हांव एकलोंच निर्शेवंक ना. बुडिल्लो ना. खूब आसतले घडये. आयज म्हाका तूं मेळ्ळो. जण एका तरणाट्यान जर निर्शेवणेन सो-याक वेंग मारली तर ह्या म्हज्या देशाचो फुडार किदें? कोण सांबाळटलो म्हजे भुयेंक? तरणाटो देशाचो खांबो आनी तोच जर बरगेलो तर फुडें किदें? तरणाट्यांक न्याय दिवपा खातीर हांव झुजतलों. सुरू करता हांव एक संघर्श. एक लडाय.

तरणाटो २ : मागीर आतां हे बाटलेंतल्या सो-याचें किदें? तुवें तर थारायलां सोरो सोडपाचो म्हण.

तरणाटो १ : तो आतां हे धर्तरेक ओंतपाचो (ओंतपा खातीर वता.)

तरणाटो २ : तशें करूं नाका. म्हाका दी तो. असो उडोवं नाका. देव तुजें बरें करतलो.

तरणाटो १ : तुका दिवं? मागीर संघर्श कसलो तर? आतां वाट दाखोवप हेंच म्हजें काम. जाता तें जावं. चल आमी भुजाक भूज लावन काम करुया. (सोरो ओंतता आनी बाटली भायर मारता)

तरणाटो २ : बाटली भायर मारली? बरें केलें. बाटले पोंदाक दोन थेंबे मेळटले. तान मरूं. खाज तरी भागतली. तूं आनी तुजो संघर्श तूंच कर. (धांवपाक लागता.)

तरणाटो १ : खंय वता?

ारणाटो २ : तुवें उडयल्ली बाटली हाडपा खातीर.

ारणाटो १ : सोड ती. एके नवीन जिणेक सुरवात करुया. आयक म्हजें. ते बाटलेंत एक थेंब ना. फाटीं सर (तरणाटो २ धांवता) सुदरतलो. आयज ना फाल्यां सुदारतलो. हांव म्हजे यत्न सोडचों ना. एक ना एक दीस सत्याचो दिश्टावो ताकाय जातलो. (तरणाटो २ धांवत येता आनी फाट करून आशिल्ल्या दुस-या तरणाट्याचे तकलेर नेटान बाटली मारता. तो सकयल पडटा. फुडले संवाद म्हणटां म्हणटां ताचे तकलेर बाटली मारीत रावता.)

तरणाटो २ : संघर्श करता खंय. एका घोंटा खातीर कितली लाळ वगडायली. कितलीं नाटकां करपाक लायलीं. आपुणूय जगचो नासलो आनी आमकाय जगपाक दिवचो नासलो. वाट चुकिल्ल्या तरणाट्यांक मार्ग दाखयता खंय. सगले मार्ग हांगाचे परिस्थितीन आनी चुकीचे वेवस्थेन बंद करून उडयल्यात. मार्गूच ना आनी दाखयतलो खंयच्यान? पळयात कसो फडफडटा तो. आतां खरो संघर्श हांव करतां हो निमणो आघात. (बाटली मारता. ताची कूड शांत जाता) मेलो, मेलो. (हांसता) खरो संघर्श हावेंनूंय केलो. (भायर बोवाळ) आरे! धांवत धांवात. गुरुजीक कोण तरी मारता. धांवत. (बोवाळ आयकून तरणाटो २ धांवत भायर वता. चार पांच तरणाट्यांचो चोंबो येता. प्रेता कडेन पळयतात.)

चोंब्यांतलो १ : गुरुजी, आमकां खबर आसलें. हें जातलेंच एक दीस. गांधीजीक चुकलें ना. तुमकांय चुकलें ना. पूण गुरुजी आमी मात तुमी दाखोवन दिल्ले वाटेन चलत रावतले. वांगडा तरणाट्यांक पुंजायत रावतले. तुमचो उजवाड फांकत रावतलो. (ल्हव ल्हव काळोख. भितरल्यान पद वाजता. इन्साफ के डगर पर, बच्चो दिखाओ चल कर. ये देश है तुम्हारा नेता तुमी हो कल के.)

—सोंपता—

ए फॉर एडम,
ए फॉर एपल,
ए फॉर एड्स

तरणाटो	:
जय	:
अजय	:
विजय	:
आल्बर्ट	:
तरणाटो	:
गिरायक	:
आण्टी	:
सुकांती	:
१ चली	:

ए फॉर एडम,
ए फॉर एपल,
ए फॉर एड्स

(एके वटेन खंयच्याय कॉलेजीचो कॅम्पस दिसता असो देखावो. सिम्बॉलीक आसचो आनी दुसरे वटेन वेश्या वस्तींतली एक कूड आसची. एकांकिका दोनूच जाग्यार घडपाची आसा. पड्डो उघडटा तेन्ना एक वीस वर्सांचो तरणाटो माचयेर पुस्तक वाचीत बसला.)

तरणाटो : जण एकल्याक वळख आसता. एक टॅग आसता. प्रत्येक वस्तूक ती वस्तू निर्माण करपी कंपनीचो टॅग आसता. तसोच आमकाय टॅग आसता. आमच्या आवय बापायचे, जातीचो, धर्माचो, शिक्षणाचो, आनी बापायच्या आडनांवाचो. जण एकलो जल्माक येतनाच बापायचें आडनांव घेवनच जल्माक येता. देखुनूच तर नर्स डॅलीव्हरी उपरांत भुरगें काडून बापाय कडेन दिता. पूण कांय आसतात कपलफुटके. तांकां बापायचें नांवूय मेळना आनी आडनांवूय. अनाथाश्रमांत दवरतात तेंच नांव, तेंच आडनांव. म्हाकाय नियतीन ह्याच गटा खातीर जल्माक घातिल्लो. पूण म्हज्या नशिबान मात नियतीचेर लेगीत मात केली. म्हाका नांव मेळ्ळें, आडनांव मेळ्ळें, सगळें मेळ्ळें. फकत बापायचें अस्तित्व मेळ्ळें ना. ताचो मोग मेळ्ळो ना. हेर भुरग्यां सारकें बापायचें बोट धरून चलपाचें भाग्य मेळ्ळें ना. पूण नांव मेळ्ळें. म्हज्या जिविताची काणी तशी हांगच्यान.... ह्याच कॉलेज कठ्ठ्या वयल्यान सुरू जाता. पळयात. (तो थंयच उबो. दोन-तीन तरणाटे गजाली करीत येतात.)

(प्रसंग १ कॉलेजीचो कॅम्पस. तीन इश्टांचीं चकाटां चालू आसात.)

जय : किदे रे? किद्याक निर्शेवणी. आमी पत्रकारीतेचे भुरगे. आमी निर्शेवचे न्हय, आमी लोकांची निर्शेवणी पयस करची ना जाल्यार वाडोवची तरी, भंकस बातम्यो दिवन.

अजय : मात्सो वोग्गी रावता? आतांच खंय तरी स म्हयने जाल्यात आनी रोखडोच स्वताक पत्रकार म्हूण मिरोवपाक लागलो. पयलीं पास जा. मागीर पळोवया. खंयचे तरी मिडियेंत काम मेळपाक जाय, मागीर मार धोलार बडी आनी नाच.

विजय : जय, म्हजे अपुरबायेचें बाय ते. सरांचें इतलें मनाक लावन घेवं नाका रे. 'अपयश ही यशाची पहिली पायरी असते.' अशे संत तुकारामान आपल्या अभंगांत म्हणलां.

अजय : हे फकांड, संत तुकाराम न्ही....? अशी memory दवरशीत जाल्यार सिएमाच्या जाग्यार पिएम केलें म्हण बरयतले तुमी. पेपराचेंय घट्टण आनी तुजे पत्रकारितेचेंय घट्टण जातलें.

जय : कोणें म्हळां तर?

विजय : म्हाका तरी खंय खबर आसा.

अजय : ये रेड्यानो अब्राहम लिंकनान म्हळां तें.

दोगय : हय मरे! तुजी memory इतली बरी, अभ्यास इतलो बरो, पूण पेपर सादरीकरण किद्याक फेल गेलें काय?

अजय : म्हजो विशय चुकलो. मटको हो विशय घेवपाकच नाका आसलो.

जय : म्हज्या मोगाळ इश्टा, मटको हो अती संवेदनशील विशय अशें पेपरांनी छापून येता. हें तुका खबर ना तर? मटको फकत खेळपाचो आसता. ताचेर संशोधन करचें न्हय.

विजय : पूण सरांन पेपर एकदम वायट अशें खंय म्हळा तर? फकत below expectation अशें म्हळां. जाणा मरे! Times of India सारक्या दिसाळ्यांचे सर आदले संपादक. I think he want something extra ordinary from you.

जय : फुडले फावट बरो विशय घे पळोवया. (इतल्यान आल्बर्ट तांचे सरीं पावता. आल्बर्ट एक Happy go Lucky भुरगो.)

आल्बर्ट : Hi ! Buddy! What's going on? तुमगे भशेन कीद चोल्लां कांय म्हुण्टां. आनी हें अजया पोल्यार थापट कोणें माल्लें? पुजान रे? अजय तुगे फास्की पूण सामकें ते भशेन हां!

जय : तेगे पेपर आयज फेल गेलो. म्हणून ताचो mood off जाला. ताका

नामनेचो पत्रकार जावचो आसा, देखून ताणें मन लावन पेपर तयार केलो. सराक मानवलो ना.

आल्बर्ट : तुमगे कोंकण्या भुरग्यांचें हेंच! स्कूल, कॉलेज, स्टडी आनी उण्या पोयशांची ओडली नोकरी. आमगे चोयात रे! S.S.C जायना फुडें हॉटेल मॅनेजमेण्ट... डिप्लोमा जालो म्हणटकच विनंती बार एण्ड रेस्टॉरण्टांत काम कोरचें, सर्टिफिकेट घेवची आनी दुस-या खिणाक बोटीर वेटर... म्होयन्याक एक लाख. तें सोड, काल दुबयसान मांयन दुडू धाडल्यात. चोलात विनंतीन एक एक बियर मारया. आनी मागीर हांव चोल्लों बायणा.

जय : थंय आतां किदें आसा तर? दर्यादिगेर बसपाक वोयता किदें रे?

आल्बर्ट : किदें आसा? फुंयच्या संवसारांत आहात रे तुमी? तुमी येता म्हज्या सांगाता?

विजय : पूण सरकारान मेकळें केलें न्ही रे तें?

आल्बर्ट : ते पेपरांत फोटो येवपा लागून. पायलटा बोगले वोयंचें आनी विचारचें. ऐश्वर्या आनी काजोला शुटींग फुंय चल्लां काय म्हूण. तो ज्युस्त वोरता तुमकां. तुमी येताय? दुडू म्होजे.

जय : नाका रे बाबा! आमगे बियर बरी आसा! दोनदा टॉयलेटा गेलो.. काबार बियर...

आल्बर्ट : मागीर तुमकां experience कैंसो मेवंतलो तर? फाल्या काजरा उपरांत तुमकां पिचीर फेंवपाक जोमतलें मुरे? पोंयलीं नॅट प्रॅक्टीस. मागीर टॅस्ट मॅच... तुमी सोंस्कारी भुरगे मुरे...

विजय : आरे! पूण एड्स जाता न्हूं रे थंय गेल्यार.

आल्बर्ट : घांटी मुरे हो! रेनकोट किद्याक आसात तोर? येता तोर येयात. हांव वोयतां.

सगळे : रेनकोट?

आल्बर्ट : कॉण्डम रे.

सगळे : शी! उच्चारपाक लज दिसना रे?

(my heart is beating, keeps on repeating हें पद म्हणत आल्बर्ट वचपाक लागता.)

अजय : आल्बर्ट राव! (आल्बर्ट फाट परतिता)

आल्बर्ट : कोण? अजय तूं?

सगळे : अजय तूं?

अजय : म्हाका फुडल्या पेपराक विशय मेळ्ळो. देशपांडे सरांकडल्यान आतां फाट थापटून घेतांच.

जय : कसलो विशय? शिंदळकी करपी त्या बायलांच्यो तूं मुलाखती बी घेंवपाच्यो चिंतता काय किदें रे? (हांसता)

अजय : हय, तांची मुलाखत, तांचे विचार, तांची जीण

आल्बर्ट : पूण तांकां उलोवपाक वेळ आसोता? मुगे सारके जायते लायनीक आसोतात.

अजय : वोराक कितले पयशे?

आल्बर्ट : वोरा कोंतार पोयशे घेवपाक त्यो किदें भाड्या मोटारसायकली रे? टांय-टांय फिस्स जालें म्हण्टकीर तुवेन फुज्यो काडप.

अजय : तें म्हजेर सोड तूं.

जय : मेल्ल्या. पूण तुजे फास्केक कळत जाल्यार?

अजय : हांव ताका सगळें सांगतलों. समजायतलों ताका. आनी तें तुमचे सारकें नॅरो मायण्डेड न्ही. चल या आल्बर्ट. (वतात. तरणाटो माचयेच्या दुस-या तोंकाक आसा, जंय वेशावस्ती कूड आसा थंय पावता.)

तरणाटो : कॉलेजीच्या कॅम्पसांत सुरू जाल्या म्हज्या कथा विस्ताराक हांगा सारें मेळ्ळें. हांगाच तर म्हज्या जल्मदात्यान म्हज्या जिविताचो श्रीगणेशा केलो. त्यो पळयात, साजश्रृंगार करून सुंदर सुंदर अस्तु-यो आतां हांगा आपलोच बाजार मांडटल्यो. (सुमार चार पांच चेडवां एकामेकाची फकांडां करीत येतात. हांसतात, खिदळटात, पूण आण्टी येतकच आवाज कमी. हांगा सीम्बॉलीक चार कुडी दाखोवच्यो फकत दार दाखोवन. एक गिरायक भितर सरता. इतल्यान ताचो मोबायल वाजता.)

गिरायक : हां! किद्याक फोन केल्लो? ना! वेळ जातलो. ऑफिसांत म्हत्वाची मिटींग आसा. तूं जेवन घे. सांगलें न्ही, फोन दवर. (हांसत आण्टी कडेन पळयता. ती एके चलये कडेन बोट दाखयता. तो हांसत-

लजत ताचे फाटल्यान वता. इतल्यान आल्बर्ट आनी अजय पावतात. पयस रेडवोचेर 'पान खायो सय्या हमारो..' हें पद चालू आसा. माळये वयल्यान गिरायक आयलां हें दाखोवपा खातीर. नेपथ्यांत स्टेप्सांचो वापर करचो. कांय गिरायकां घाम पुशीत. हांगा थंय पळयत भायर सरतात.)

आल्बर्ट : यो रे, भियेवं नाका. ही चोंय आण्टी, पोंयलीं बायणा बिचार बार चोलयताली. आतां हें सोगलें सांबाळटा. होंडा सिटी घेवन भोंवता. खबर आसा? हाय! Aunty, how are you?

आण्टी : मायन दुडू धाडले किदें रे?

आल्बर्ट : आण्टी, हो मुगे मुजो friend. पयलेंच फावट...

आण्टी : पोयलीं फावट? ताका विचार, सोपनांत बिपाशाक कितले फावटी वेंग मारल्या?

आल्बर्ट : सोपनाचें सोड. सोपनांत काल हांवें तुजे धुवे लागीं काजार केलां. पूण केलां? आतां गोजाली मारया काय कामाचें उलोवया? हो पोयलेच फावट.. ताका comfortable जाता अशें दाकोय.

(हांचें उलोवप चालू आसताना उब्या चलयांचे हाव-भाव चालू आसात. अजय कांचवेला.)

आण्टी : ये सुकांती, घे गो ताका. (सुकांती येवन ताचे लागीं उबें रावता. अजय कांचवेता. जाग्यार उबो.)

सुकांती : ये चिकने, डर गया क्या? सुरवेक अशेंच जाता. सुरवेक तुमी भियेतात, मागीर तुमचो भंय आमकां दिसपाक लागता. ह्या आल्बर्टाक एकदांच घेतला. दोन दीस आंग मोडून आयिल्लें. चल, चिकने चल. धंदे का टायम है. खोटी मत कर.

आल्बर्ट : झेतान आयला मरे. आतां झेतान चल.

१ चली : अबे वो सलमान खान, मेरे साथ आता क्या?

आल्बर्ट : तुगे मांयचें काजार. हांव क्या मरा है मेरी जुही चावला? (आल्बर्ट ते चलये फाटल्यान धांवत भितर वता. दारांतल्यान भायर गोमटी काडून उलयता.) अजय, बेगीन हां. केन्ना केन्ना पुलीस हांगा रेड मात्तात. (तें चली ताका भितर ओडटा. अजय सुकांती फाटल्यान

चलत रावता. भितर वतना भियेत - भियेत वता. तें चली दार लावन खाटीर बसता. अजय उबो.)

सुंकाती : आतां असोच उबो रावतलो? बोणी आसा रे. पुराय दीस मागीर पिड्डयार जाता सुरवात खोटी जाल्यार. (दोगांय एकामेकाक पळयतात. तें तोंड उगडपाक इतल्यान.)

अजय : हें पळय, हांव तुका दुपटीन पयशे दितां. पूण हांव तूं समजता तें करपाक येवंक ना.

सुकांती : मागीर इस्पिकांनी खेळुया तर. (हांसता)

अजय : फकाडां न्हय. म्हाका तुमच्या सूख दुख्खांचेर लेख बरोवचो आसा. आमी ताका पेपर म्हणटात. ताका मार्क आसतात. (तें चली हांसता)

सुकांती : देवा! सायबा!! आयजच्या दिसाक पडली पाड. पयलेंच गिरायक असलें.

अजय : हें पळय, म्हजें एक सपन आसा. म्हाका एक व्हड पत्रकार जावचो आसा. देखून अश्या वेगळ्या विशयाचो म्हाका छंद आसा. तूं जर म्हाका मदत करशीत जाल्यार तुज्या आंगाक हात लावचे पयलीं हांव तुका डबल पयशे दिवंपी.

सुकांती : तूं व्हड शिकिल्लो दिसता. हांव ल्हान मनीस, तुका हांव किदें मदत करूंक शकतां?

अजय : खूब फावटीं ल्हान ल्हान गजालीच विश्वाक वेंग मारपी कर्तुपां करून दाखयतात.

सुकांती : तूं एक पत्रकार हें जर...(अजय ताका तोडटा)

अजय : हांव अजून पत्रकार जावंक ना. हांव पत्रकारितेचो कोर्स करतां.

सुकांती : पूण तुका हांगाची माहिती बरोबपाची आसा. ही माहिती तूं तुजे डायरेंत बरोवन दवरतलो काय चार- चवगांक वाचून दाखयतलो?

अजय : ताचेर पेपर present करचो आसता. पूण... तूं भियेवं नाका.

सुकांती : कसलीय गजाल एका मनशाक कळत जाल्यार ती गांवभर जावपाक चड वेळ लागना. आनी हें जर आण्टीक कळत जाल्यार तूं मेलोच. वयल्यान म्हाकाय उपाशीं रावचें पडटलें.

अजय : हरशीं म्हूण हांगा हो वेवसाय चलता हें जगाक खबर आसा, देखून

आल्बर्ट हांगा येता न्हय? (कोणतरी दारार मारता.)

सुकांती : (रागान) अंदर गिरायक है. हलकट.

अजय : तुवें किदें चिंतला?

सुकांती : हांव तुका माहिती दितां. पूण सगळी एकाच दिसा न्हय. दर दिसा थोडी थोडी. तूं म्हाका हांगा सद्दां आयिल्लो जाय. कमींत कमी एक म्हयनो तरी. हांव तुका प्रत्येक चलयेची माहिती दितां. त्यो हांगा कश्यो आयल्यो, तांची फाटभूंय, हांगासरली सुरक्षायंत्रणा. गुंडगिरी, राजकरण, सगळें सांगतां. पूण इल्ली इल्ली.

अजय : तूं पयशां खातीर अशें उलयता न्ही? हांव तुका धा दिसांचे पयशे एकूच फावट दितां. हांगा सद्दां आयल्यार लोक किदें म्हणटले? आनी कोणें पळयल्यार?

सुकांती : तुका मान्य आसत तर गजाल फुडें व्हरया, नाजल्यार आतां तूं गेल्यार जाता. इतल्यान म्हजीं दोन गिरायकां जाता आसलीं. तूं पयले फावट म्हण आण्टी अजून वोगी आसा. नाजाल्यार 'बाहर फेक उसे' अशें म्हणटा आसली.

अजय : पूण हांव तुका सदांच किद्याक जाय? हांव काय तुज्या आंगाक हात लावचों ना.

सुकांती : तुवें सद्दां म्हज्या आंगाक हात लायिल्लो म्हाका जाय.

अजय : शी!शी! म्हज्यान जावचें ना.

सुकांती : पुरूश मरे तूं? मागीर जावचें ना कशें तर? पुरुशार्थ गाजोवपाक हाचे सारको दुसरो जागो ना.

अजय : आमी संस्कारी भुरगे. पुरुशार्थ केन्ना गाजोवपाचो तें आमी बेस बरे जाणात. पूण म्हाका एक सांग. दिसाक हांगा इतले जाण येतात, तरीय तुजे कुडीची भूक भगना?

सुकांती : (मात्सो आवाज चडोवन. तिडकीन) ते कोले येतात ते फकत बायलेक पिसडून उडोवपाक. भोग आनी कर्मभोग हांची जाणविकाय आमकां करून दिवपा खातीर... तांचे नदरेंत फकत वासना आनी वासनाच आसता. (परत दारार थापटी)

सुकांती : (पयले परस आवाज चडोवन) गिरायक आसा, एकदा सांगले न्हय हलकट. (शांतताय. अजयाक पळोवन) पयले फावट हांगा एक

पुरूश आयला. भोगपाक न्हय. एक असो स्पर्श जाय म्हाका जो म्हज्या शिरंतरांनी ल्हारा भोंवडायतलो, एक असो स्पर्श जो म्हाका बायलपणाचें चैतन्य दाखयतलो. म्हाका तुजो एक रुपया नाका.

अजय : पूण हांवच किद्याक? तुका जाय तसोच कोणय येत घडये.

सुकांती : आनी ना आयलो तर? बरें तूं चल आतां. म्हजो वेळ जालो. तुजें काम म्हजे कडेन जावचें ना. तूं आनी तुजो पेपर झक्क मारात. (दार उगडपाक वता..)

अजय : म्हाका मान्य आसा. कसोय करून म्हाका हो विशय केळवचो आसा. (तांका गोपांत घेवपाक फुडें सरता.. काळोख)

प्रवेश दुसरो

(कॉलेजीचो कॅम्पस. जय, विजय गजाली मारीत बसल्यात.)

जय : दिल्ली भोंवडेक मजा आयली न्ही!

विजय : एक दीस तरी हांव लोकसभेंत बसून Reporting करतलों.

जय : आरे! तुका नवीन Assignment खबर आसा? आमकां प्रत्येकाक वेगवेगळ्या राज्यांतल्यो विधानसभा वांटून घातल्यात. एका दिसाच्या कामकाजाचें आमी Reporting करून ते पेपर्स विद्यापिठाक सादर करपाक जाय.

विजय : Great! (नाका इतल्यान आलबर्ट धांवत येता)

आल्बर्ट : आरे! Great! Great! तो Great मनीस खंय?

जय : कोण अजय रे? तो दिल्ली साकून आयला तेन्ना सावन आपल्या पेपरांक Finishing करपाच्या कामांक लागला.

आल्बर्ट : त्या पेपरांनी घात मारलो ताचो! तो आतां मरता. (मोबायला वयल्यान फोन करता) फूंय आसाय रे? इंगा बेगीन यो. (फोन कट करता)

विजय : Any problem Albert?

आल्बर्ट : आरे! तो पाय जावपा आसा. फूंय आसात तुमी.

जय : लग्न जावंचे पयलींच बापूय. सारको आसा मरे?

ाल्बर्ट : आरे! अशेंच जालां. तें सुकांती आवय जावपा आसा.

ेजय : आमचे कॉलेजींत सुकांती कोण आसा?

ाल्बर्ट : आरे! सुकांती आमगे बायणा कॉलेजी student (नाकाक बोट लावन) माल रे माल. हो सद्दां वोयतालो न्ही रे तिंगा! (अजय येता)

ाजय : हाय! हिरो, एसायण्टमॅण्टाचो विशय कळ्ळो रे! मजा येतली!

आल्बर्ट : पोयलीं म्हयनोभर मजा केल्या ती सांलवार कोर.

अजय : कसली मजा?

आल्बर्ट : आरे! सुकांती दोयडि-या, सुकांती.

अजय : ताचें किदें जालें?

आल्बर्ट : ताचें किदें जालें? ताका जावपा आसा टॅवं... टॅवं... आनी ताणें सांगिलां, हें भुरगें तुजेंच. फाटलो म्हयनोभर ताणें तुका सोडून कोणाकच बोगले घेयलो ना. देखून आण्टीन सांगिलां म्हाका. सोमजोले?

अजय : हांव तांका सांगपी abort कर म्हण.

आल्बर्ट : अबोर्सन इज not major issue. आरे सुकांती कोण? एक call girl. तेगे जायते customer आसोतात. देखून ह्या चेडवांग एड्स् आसोता. आतां तुका एड्स जातलो तांचे किदे? म्हयनोभर मजा केली. विचारी आनी संस्करी भुरगो. तुवें कॉण्डोम वापरलो ना?

अजय : आरे! हांवें पॅडसां बांदून बॅटींग केल्या. सुकांती किदे तरी गडबड करता. हांवें कॉण्डोम वापरला.

आल्बर्ट : आरे ह्या संवसारांत सगळेंच duplicate. त्या सुकांतीन challenge मारलां फूंय DNA test करपाची. फाटलो म्हयनोभर ताणें तुका सोडून खंयचेंच गिरायक घेवंक ना.

जय : पूण अशें किद्याक केलें ताणें?

आल्बर्ट : आरे! ती वेगळीच काणी. ताणें सांगलां, लग्न जावन पांच वर्सां जालीं तरी भुरगें जायना म्हूण ताच्या घोवान नेपालच्यान हिंगा गोंयां हाडून विकिल्लें फूंय ताका. आवय जायनासपांत ताची कांयच चूक ना. हे ताका दाखोवन दिवपा आसलें. आनी देखुनूच ताणें पयलेच फावट गिरायक जाल्ल्या अजयाक मनांतल्यान आपलो

घोव मानलो आनी आतां तें ताच्या भुरग्या आवय जावपा आहा.

अजय : आरे देवा! म्हणटकच म्हाका एड्स जातलो? पापाक किदें सांगू? पुराय शारांत आमच्या घराब्याचें नांव पेड्ङ्यार जातलें. ताणें म्हाका फसयलो. ब-या भावार्थाचें दिशिल्लें म्हाका तें. म्हजी पिराय ती कितली. आईक अजुनूय हांव ल्हान दिसता. हें प्रकरण जर आईक कळत तर... देवा! साबाळ म्हाका. (धांवता)

जय : अजय, बेठोच भियेवं नाका. पयलीं ताका दोतोरगेर व्हरून तें खरेंच गुरवार आसा काय ना हाची खात्री करुया. घडये तुका फसोवपा खातीर तें नाटकां करता आसतलें. ताका तुजे कडल्यान पयशे उखलपाचे आसतले. धीर धर. मार्ग काडुया आमी. (तरणाटो येवन बसता. सगळे पळयतात आनी उलयतात हेर फ्रीज आसात.)

तरणाटो : खरे म्हळ्यार हातूंत चूक सुकांतीची नाच. म्हणजे म्हजे आवयची. तिकाय दिसतालें, ज्या घोवान आपणाक हांगा हाडून विकलां ताका दाखोवचें, आवय जावन. जेन्ना म्हजे आईक कळ्ळें, म्हजो बापूय पत्रकारिता करता, म्हळ्यार ताची पुलिसां कडेन वळख आसतली आनी एकदीस ताच्याच आदारान नेपाला परत वचून घोवाचेर थापट मारप आनी सांगप, दोश म्हज्यांत नाशिल्लो. तूं नपूंसक आशिल्लो. शरिरान आनी कतृत्वान लेगीत. दोन कारणाक लागून म्हज्या बापायक ताणें लागीं केलो. एक आवय जावपा खातीर. आवय! अशा पुरुशा पासून जो वासना विरयत श्रृंगार करपाक शकतलो. आनी दुसरें कारण म्हळ्यार ताका ते बंदखणींतल्यान सुटका जाय आशिल्ली. तिचीं दोनुय सपनां पुराय जालीं. आवय जावपाचें आनी थंय सावन सुटपाचें. (शांत बसता. हेर उलोवपाक लागतात. परत एक फावट कॉलेजीचो कॅम्पस)

जय : हांवें चितूंक नासलें अशें जायत म्हण. तो हळवो आशिल्लो पूण अशें करीत अशें हांवें चिंतलेंच ना.

विजय : आमच्या पेडार काल अजयाक पळयलो. निमणो. परत आनी केन्नाच ना. आतां फकत ताच्यो यादी.

जय : तू मसुंडींत सकाळीं किद्याक आयलो ना.

विजय : धीर जालो ना. हांव आनी आल्बर्ट बियर मारीत रावले. ताचो

उगडास पयस करपा खातीर. आमचें चुकलें! आमी ताका एकटो सोडपाकूच नाका आसलो. (सगळे फ्रीज)

जय : पूण हांव म्हणटां, हो इतलो भावनीक जालोच कसो? एड्स किदें रोखडोच जाता? एड्स जातलो या भंयान मरपी हो पयलोच आसतलो.

तरणाटो : जेन्ना म्हज्या बापायन गोळ लावन घेवन आत्महत्या केली हें म्हजे आवयक म्हणजे सुकांतीक कळ्ळें तेन्ना ती मात्शी भियेली. हांवूंय गर्भांत चिंतपाक लागलों, आतां म्हजें कशें जातलें? हांव संवसारांत येतलों काय येवचे पयलींच देवा कडेन परत. पूण म्हज्या बापायची म्हाका तोखणाय करीन दिसता. पुराय पुरूश आसलो तरी तो वयान तसो ल्हानच आशिल्लो. पूण ताची समजिकाय मोठी आशिल्ली. देखुनूच ताणें म्हजोय विचार केलो आनी म्हजे आवयचोय विचार केलो. मरचे पयलीं एक लांबलचक अशें सविस्तर पत्र ताणें बरोवन दवरलें. तातूंत बरयल्लें, "पापा-आई, हांव गेले उपरांत म्हजें भुरगें जें सुकांतीच्या कुसव्यांत वाडत आसा ताका तुमचें मानात. चलो जांव चली. म्हजें अस्तित्व तुमकां मागीर जाणवत रावतलें. म्हज्या बापायच्या इश्टांचो खबरी अजून चालूच आसात. पळोवया.

जय : विजय, आल्बर्ट ही पळयात, ही खबर वाचात. सुकांतीन गोळ लावन जीव दिलो.

विजय : अरे! पूण बाळंत जावन ताका एकूच दीस जाला खंय मरे?

जय : किदें जालां?

विजय : चलो जाला. म्हणजे आमचो अजय परत आयलो तर?

आल्बर्ट : रेड्या, तें बॉक्सांत छापलां तें वाच मोरे पोयलीं. "जरी ती व्येवसायाने वेश्या असली तरी तिची एड्स चाचणी नॅगेटीव आल्याने सर्वांनी आश्चर्य व्यक्त केले. तसेच तिचे बाळ सुध्दा गुटगुटीत आहे."

विजय : देवा म्हज्या! म्हणजे अजय बेठोच मेलो तर? सुकांती हरशीं म्हण तें भुरगें काय अजयाच्या आंगार मारचेंच नासलें. so अजयाक लज जावपाचो प्रश्नच उप्रासचो नासलो. तें गेल्लें घोवाक बुद्द शिकोवपाक. पूण म्हारग पडलें आमच्या अजयाक आनी बाबड्या सुकांतीक. चल या, अजयाच्या चेड्याक पळोवपाक. (वतात)

तरणाटो : म्हाका पळोवन सगळ्यांक वायट दिसतालें. एके वटेन तांकां काकळूट दिसताली तर एके वटेन तांचो इश्ट परत आयला म्हूण कवतूकय दिसतालें. तशें म्हजें नशीब बरें. म्हज्या आज्यान आनी आजयेन म्हाका सगळे सोपस्कार करून आपल्या ताब्यांत घेतला. आतां तीं म्हाका फोडा सारको जपतात. हांवूंय लेगीत थंय पावचों न्हय म्हण. ए फॉर ऍपल शिकोवच्या जाग्यार तांणी म्हाका सदांच ए फॉर एड्स शिकयलें. देवाची म्हण करणीच विचित्र. ए फॉर एडम ताणेंच तयार केलो. मनाय करून लेगीत इवान जो खालो तो ए फॉर एपल ताणेंच तयार केल्लो. तो तयार करुंकूच नाशिल्लो जाल्यार घडये ए फॉर एड्स येवपाचोच नाशिल्लो. निमणें एकूच सत सांगतां. ए फॉर एड्स आसा आनी रावतलें. काळजी तुमी घेवपाची. सगळेच म्हज्या सारके नशिबवान थारचेनात. बाय. (पड्डो पडटा)

—सोंपता—

राजिनामो

निवेदक	:
सदानंद	:
गांवकार १	:
गांवकार २	:
गांवकार ३	:
गांवकार ४	:
गांवकार ५	:
सरपंच	:
चॅअरमॅन	:
मॅनॅजर	:

राजिनामो

प्रवेश पयलो

(माचयेर चवथ-याचेर सदानंद उबो आसा. फ्रीझ जावन पुतळ्याचे अवस्थेंत. पड्ड्या फाटल्यान घोशणांचो आवाज.)

घोशणा : आरे येवन येवन येतलो कोण? कपाटा शिवाय दुसरो कोण? ताई माई अक्का, विचार करा पक्का कपाटावरच मारा शिक्का. वोट फॉर कपाट. कपाटाकच मत मारात. सदानंद भाई तूम आगे बढो, हम तुम्हारे साथ हैं. (घोशणा चालू आसतनाच ते माचयेर पावतात.)

सदानंद : मतदानाक निमणे तीन दीस उरल्यात. असोच नेट धरात. कशेय भशेन तुमचो एकचार सांबाळून दवरात. सरपंचां कडसून आमिशां येत रावतलीं. तुमकां फोडपाचे येत्न जातले. एकठांय रावात. एकचार सांबाळून दवरात.

गांवकार१ : हय, हय, सदाभाई. काल सरपंचान सगळ्यांक आपल्या फार्मांत मेजवानी दिल्या.

गांवकार२ : आमच्या वाड्या वयले खूबशे लोक गेल्ले अशें आयकलां.

गांवकार३ : सुटला रे तूं तकलेंत? सगळे लोक आमच्या वाड्या वयले नाशिल्ले. गर्दी दिसपाक जाय म्हूण हेर वाड्या वयले लोकूय गेल्ले. भुसकें मेळटा जाल्यार कोणूय धांवतलोच.

गांवकार४ : जेवले उपरांत बायलांक साडयो आनी दादल्यांक पॅण्टपीस वांटल्यांत खंय.

गांवकार५ : हय! हय! सरपंच स्वता सगळ्यांक वांट्टालो खंय.

सदानंद : हांव तेंच सांगतां तुमकां. निमणे तीन दीस सय्यम दवरात. दोळ्यांत तेल घालून रावात. पयलेच फावट आमचे पंचायतींत वेंचणूक जाता. पयलेच फावट आमच्या वाड्या वयलो मनीस वेंचणूक लढटा. कितलो तेप जालो तो तुकाराम आमचो पंच. आमच्या वाड्याचो आनी ताचो कांयच संबंद ना. तोच निवडून येता तो लेगीत बिनविरोध. जे कोण सरपंचागेर भुसक्याक वतात

तांचे कडेन म्हजें एकूच मागणें आसा. विचारात जाब त्या सरपंचाक. किदें केलें ताणें ह्या सामान्य लोकां खातीर?

गळे : बरोबर तुजें सदा. किदें केलें ताणें आमचे खातीर?

ांवकार १: आमचे वाडवडील लोकांच्या गोरवांचीं पोटां चिरताले. आतां आमीय तेच करतात. आमच्यो बायलो गांवार भोंवून वाडी मागताल्यो आयज आमच्यो बायलो तेंच करतात. आयज हाची गाय जाल्यार फाल्यां सावंताची म्हस. बापायचो फात कसो मेल्ली जनावरां हाडून आमच्या वाड्यार उडयतात. जशें काय तांचो विलो आमीच लावपाचो, सासणाचीं सासणां. कित्या खातीर? तर वेंतभर पोटा खातीर आनी हात भर चामडे खातीर.

ांवकार २: गांवांत कोणाचेंय लग्न जावं. आमचें काम किदें तर भायर शेनाय वाजयत बसपाचें. सगळ्यांचीं जेवणां जाल्या उपरांत उरिल्लें अन्न बांदून हाडपाचें. ना मान ना भोवमान. चल्लां आपलें.

ांवकार ३: जाणट्यांनी तेंच केलां आमीय तेंच करपाचें.

सदानंद : सगळें बदलून उडोवया आतां. सरकारान आमचे खातीर खुबश्यो येवजण्यो केल्यात. कितल्या लोकांक खबर आसा? आमच्या स्किमींचो पयसो सरपंच गिळीत आसा. सरकार पयसो आमचे खातीर धाडटा. आमचें कल्याण जावचें म्हूण, आमी सुदारचे म्हूण. पूण सरपंच तोच पयसो वापरता आनी गांवगुंडांक दिता. तेच गांवगुंड मागीर वेंचणुकेच्या वेळार आमकां येवन धमकायतात आनी फॉर्म भरपाक मनाय करतात. सगळें बदलून उडोवया आतां.

गांवकार ४: सदा, तुज्या रुपान आमकां आशेचें किर्ण दिसलां. कोण आशिल्लो तूं? आमचे सारकोच सादो मनीस. गोरवांचीं पोटां चिरपी.

गांवकार २: (आवेशान पोज घेवन) "फाडात तुमी गांवकारांच्या गोरवांचीं पोटां. सोलात तांची चामडी. सुकयात ती चामडी, करात धोल आनी शिगम्याक दोन पाव हुर्राक मारून तोच धोल गळ्यांत बांदून नाचात." सदा, तुजीं हीं भाशणां आमकां याद आसात. तुज्या भाशणांनीच आमची आस्मिताय जागी केल्या.

सदानंद : म्हज्या भाशणांतले विचार बेठेच आयकून सोडूं नाकात. ताचो

उपेग करात. आमचेच कांय लोक अजुनूय वीरोध करीत आसात. कांय जाण अजुनूय मेरेर बसल्यात. जागे करात तांकां. म्हाका फकत तुमच्या विकासाचो ध्यास आसा. म्हेनत करून आयज हांवें, जशे पयशे जोडल्यात तशेच तुमीय फाल्यां जोडपाक जाय. सगळ्यांचो उद्धार जावपाक जाय.

सगळे : हय, हय, सदाभाई, सारकें तुजें. चलात रे प्रचाराक लागुया. (सगळे जाण घोशणा दितात आनी घोशणा चालू आसतनाच ल्हव ल्हव माचयेर काळोख जाता. सगळे कलाकार फ्रीझ. अंधूकश्या आवाजान रेडव्या वयली बातमी.)

बातमी : आनी आतांच आयिल्ले माहिती प्रमाण अमनगांव पंचायतींत एकमेव जाग्या खातीर जाल्ले वेंचणुकेंत थळावे हरीजन नेते सदानंद कांबळी जैतीवंत जाल्ले आसात. (बातमी सोंपले बराबर फ्रीझ जाल्ले नाचपाक लागतात. ल्हव ल्हव उजवाड. विजयी मिरवणूक माचये भायर सरता आनी दुसरे वटेनच्यान भितर वता. हें सरपंचाचें घर सिंबॉलीक दाखोवचें.)

सरपंच : येयात, येयात, पंचमहोदय येयात. जैताची मिरवणूक तडक आमच्याच बंगल्या मेरेन. आमकां बेजार करपाक? आमकां चाळोवपा खातीर. बरोबर? तुजेंय म्हूण बरोबर सदा. आतां दीस तुजेच. जिखता तो खरो. तूं नेतो. आमच्या गांवचो बाबासाहेब आंबेडकर तूं आतां. दैवाचें म्हूण कवतूक दिसता. काल पयर आमच्या लग्नाक शेनाय वाजोवपी, आमचें उरिल्लें अन्न बांदून घरा व्हरपी सदा आज सन्माननीय पंचसदस्य. व्यासपिठार आमचे वांगडा बसतलो.

गांवकार१ : सदाभई आतां शेनाय वाजयना. ताच्या गोठ्यांत पांच गोरवां आसात. आनी तीं लेगीत जितीं, पोटां फुगिल्लीं न्हय.

गांवकार२ : सरपंच, थोडे दीस राव, शंबर गोरवांची डेरी उबी जातली आमच्या वाड्यार.

सरपंच : (कुश्चिद्रीपणान हांसत) आरे बाबा रे! तुमी कार्यकर्ते न्हय. खंदे कार्यकर्ते. आतां तुमी उलयतलेच. जिबेक धार चडल्या न्हय. जिखले तुमी. ज्यो जिता वही सिकंदर. उलयात.

सदानंद : सरपंचबाब आमी हांगा आयल्यात ते तुमकां चाळोवपा खातीर

न्हय. हांव आयलां तो तुमचो आशिर्वाद घेवपाक. हांव पयलेच फावट वेंचून आयलां. थारायलें, तुमचो आशिर्वाद म्हत्वाचो. तुमी पंचायतीचे जाणकार मनीस. (पांयां पडटा) आशिर्वाद आसचो.

सरपंच : सदा, तूं पयलेच फावट पंच जाला. हांव तुका आयुश्यभर पंच म्हूण निवडून हाडूंक शकतां. तूं फकत म्हजे वांगडा राव.

सदानंद : सरपंचबाब, चुकता तुमचें. हांव वेंचून आयलां तों लोकां खातीर आनी वेंचून येत रावतलों तोंय बी लोकां खातीर. हांव लोकां वांगडा रावतलों. लोकांक जाय तेंच सरकार दिवपाचो येत्न करतलो. तांच्या भंगिल्ल्या सपनां खातीर तांणी म्हाका वेंचून हाडला. तांचीं सपनां पुराय करप हें म्हजें पयलें कर्तव्य. तांच्यो आकांक्षा म्हत्वाच्यो.

सरपंच : सारकें तुजें. हांवेंय पयले फावट अशींच भाशणां केल्लीं. चल, तुका जर हो प्रस्ताव मान्य नासत तर हांव एक पावल फाटीं घेतां. बेठोच पंच जावन तूं कांयच करूंक शकचो ना. मॅजोरिटी म्हजे कडेन आसा. हांव सांगतां तेंच खरें जातलें. तरीय हांव मारतें घेतां आनी तुका सरपंच करतां. जाय जाल्यार हांव उपसरपंच जातां. गांवच्या विकासा खातीर हांव किदेंय करपाक तयार आसां. चल, हय म्हण आनी फाल्यां सरपंचाचे खुर्चेर वचून बस. (ह्या संवादा वांगडाच गांवकार सगळे अती उत्साहान "सरपंच सदानंद कांबळींचा विजय असो." अशी घोशणा दितात. सरपंच आनी सदानंद दोगूय तांचे कडेन पळयतात. सदानंद गंभीर, जाल्यार सरपंच मिश्कील हांसता. गांवका-याक आपली चूक समजून येता.)

सदानंद : म्हाका नाका तुमचें सरपंचपद. तुमच्या शेकातळा काम करप म्हाका मान्य ना. सादो पंचसदस्य म्हूण हांव काम करतलों. पंचायत सगळ्या वटांनी निवळ जाल्ली जाय म्हाका. तुमच्या वांगडा रावून हांव ती करपाक शकचों ना.

सरपंच : म्हणजे विचार किदें आसा तुजो आनी निवळ करतलो म्हणजे कितें करतलो?

सदानंद : इतले काचाबूल किद्याक? किद्याक बेठोच प्रेशर वाडयतात. निवळ करतलों म्हळ्यार किदें हें वेळ येतकच कळटलेंच तुमकां.

इतलीं वर्सां चार पुस्तकां शिकिल्लो पंच कोण जालोच ना. शिक्षीत फकत तुमी एकलेच. बाकीचे सगळे अक्षरशत्रू. तुमी सांगता थंयच आखाणो लावपी. पयलेच फावट म्हज्या रुपान मॅट्रीक जाल्लो मनीस भितर सरला.

सरपंच : म्हणटकच तूं म्हाका आव्हान दिता अशें हांवें समजुपाचें? तूं करतलो तरी किदें हेंच म्हाका पळोवपाचें आसा.

सदानंद : फाटल्यो सगळ्यो फायली हांव नदरे खाला घालतलों. जर खंय पयशांची भानगड मेळत तर थेट दक्षता खात्या कडेन कागाळ करतलों. जनतेचो पयसो जनते मेरेन पावला काय ना हेंच म्हाका पळोवपाचें आसा.

सरपंच : (चवताळटा) नालायका, कालच्या पोरा, म्हाका आव्हान दिता...? राव हांगाच पुरतां तुका.

(सरपंच आनी ताचे वांगडी सदानंदाच्या आंगार धांवून वतात तेन्नाच सदानंदाचे कार्यकर्ते तांच्या आंगार धांवून वतात आनी ह्या बोवाळांतूच काळोख जाता.)

प्रवेश दुसरो

(माचयेर उजवाड जाता तेन्ना सदानंद एका तोंकार आनी सरपंच दुस-या तोंकार बसला. सरपंचाच्या फाटल्यान पंचायतीचो अस्पश्टसो बोर्ड दिसता.)

सरपंच : फाटलीं तीस वर्सां जालीं हांव सातत्यान वेंचून येत आसा. लोक म्हाका मानीत आसात. किद्याक तर हांवें गांवचो विकास केला. ह्या विकासकामाची परतफेड म्हूण लोक म्हज्या मनशांचेरूय विश्वास दाखोवन तांकांय वेंचून हाडीत आसात. आतां हांव जाणटों जालां. हांव तरणाट्यांक सांगतां, मुखार सरात, वेंचणुको लढयात, पूण गांवचो लोक म्हणटा, हांव आस मेरेन तांकां राजकारण नाका.

सदानंद : फाटलीं कितलीशींच वर्सां जालीं लोक दहशते खाला वावूरतात. हेर गांवचे लोक आमच्या लोकांक भिजूड गांवकार म्हणटात. पूण

लोकांचीय चूक ना. आपूण वेंचणूक लढटां असो कोणें फकांडांनीय जरी शब्द काडलो तरी सरपंच खुबळटा. रोखडींच सरपंचाचीं मनशां तांगेर पावतात. तांकां मारप, झोडप, तांच्या शेतांक उजो लावप. असंख्य अत्याचार. देखुनूच लोक म्हणटात, झक मारूं थंय. नाका आमकां तें राजकारण.

सरपंच : पुराय राज्याचे, पुराय जिल्ल्याचे आंकडे पळयात. चडांत चड सरकारी येवजण्यो हांवें म्हजे पंचायतींत पावयल्यात. सरकारी पयसो केन्नाच परत गेलोना. रस्ते, बांयो, गटरां, शाळा, भौशीक सुरक्षा येवजण, विधवा पेन्शन. हांवें सगळें पुराय केलां.

सदानंद : सरपंचान सरकारी निधी हाडला, राशींनी हाडला पूण फकत कागदोपत्री. पूण खंय घातला. तेच रस्ते, तींच गटरां, त्योच बांयो. नव्यान केलां अशें दाखोवन पयशे खाल्यात. कंत्राटदारूय तोच आनी सरपंचूय तोच. जाणट्यांच्या नांवान येवपी हजार रुपया तांकां मेळ्ळेच नात. तांकां फकत दोनशें रुपया. हांवें सगलीं कागदां जमोवपाक सुरवात केल्या. पुराय जातकच सरपंचाच्या हांतांत बेडयो पळोवपाक तयार रावात.

सरपंच : नव्यानूच वेंचून आयिल्लो एक पंच, आमचे पंचायतीचें नांव पेड्ड्यार करीत आसा. पंचायती वांगडाच आमचे पंचक्रोशीचें नांव लेगीत इबाडत चल्लां. आनी देखुनूच म्हाका ही पत्रकार परीशद आपोवची पडली. फुडल्या विधानसभा वेंचणुकांनी घडये म्हाका तिकीट मेळत म्हूण विरोधीपक्ष आनी आमचेच कांय लोक ताका फूस लायत आसात. सळसळपी रगत ताचें गांवच्या उपकाराक पडल्यार बरें जावपाचें. तुमकां पत्रकारांक देव बरें करूं.

सदानंद : हांव राजकारणी न्हय. हांव समाजकारणी. गोरगरिबांचो पयसो गोरगरिबांक मेळचो हो एकूच ध्यास म्हाका आसा. पुराय राज्यांत म्हज्या गांवचें नांव हड्डें फुडें काडून लोकांनी घेवंचें ही एकूच म्हजी इत्सा आसा. एक आदर्श पंचायत, एक विकसीत पंचायत. करतलों हांव. तुमकां पत्रकारांक देव बरें करूं. (काळोख, उजवाड जाता तेन्ना माचयेर मद्दीं आरामखुर्चेर सरपंच बसला. उजवाड फकत ताचेर. खुर्ची धोलत आसा. निवेदन चालू आसा. सरपंच स्तब्ध. फकत खुर्चेचें धोलप.)

निवेदक : खुबूज सहजतायेन घेतलो हांवें ताका. तेन्नाच दोंके मोडपाक जाय आसले. ताची लायकी कळूं दी म्हूण फॉर्म भरीसर वाट पळयली. दिशिल्लें, हांव लोकांक धमकायतलों. सगलीं मतां म्हाका मेळटलीं आनी ताका फकत दोन मतां. एक ताचें आनी दुसरें ताचे बायलेचें. पूण जालें भलतेंच. पुराय खबरांपत्रां आयज ताचें गूणगान गावपाक लागल्यांत. हेच पत्रकार दिवाळेक, चवथीक येतले जायराती मागपाक. दाखयतां तांकां. पूण आतां हांवें किदें करप? ओग्गी रावून बंदखणींत वचप? ना. सरकार म्हजें आसा. मुखेलमंत्री म्हजो आसा. पुराय यंत्रणा म्हजे कडेन आसा. मागीर हांवें हार किद्याक मानप? आतां ताका ताच्याच उतरांनी जाप दिवपी हांव. (निवेदन सोंपता. धोलते खुर्चेर बसुनूच सरपंच उलयता.)

सरपंच : रगल्या, आपय त्या चॅरमेनाक. जाणें सदानंदाक गोरवां घेवपाक रीण दिल्लें. सांग ताका, आयजे आयज येवपाक जाय. जाय जाल्यार आयज म्हजे कडल्यान पंचवीस लाखांचें डिपॉझीट घेवन चल म्हूण सांग. (सरपंचा वयलो उजवाड कमी करचो. अंधूकश्या उजवाडान वेवस्थापक आनी अध्यक्ष वांगडा येतनाच सरपंचाच्या घरा फावतें सिंबोलीक सामान घेवन येतात. देखीक दार आनी बसपाक किदेंय. माचयेर उजवाड जाता.)

सरपंच : बसात चॅअरमॅन, बसात. फॉर्म बीन हाडला मूं? पंचवीस लाखां खातीर. (रगल्याक) रगल्या च्या हाड रे.

चॅअरमॅन : सरपंचबाब कशे आसात?

सरपंच : कसो दिसता? (हांसता) बुचकळ्ळे? आसूं. च्या घेयात. चॅअरमॅनबाब, म्हाका एक सांगात. तुमी आमच्या जिवार किद्याक उठल्यात?

चॅअरमॅन : समजूंक ना. आमचे कडल्यान कितेंय आजनेरी घडली.

सरपंच : आजनेरी तुमचे कडल्यान न्हय आमचे कडल्यान घडली. तुमचे बँकेचो फांटो आमच्या गांवांत उकतो करपाक तुमकां संद दिली. आयज तुमचे बँकेंत आमचेंच भाग-भांडवल कितलें आसा खबर आसा? फाल्या जर आमीं तें काडलें जाल्यार तुमकां तुमची शाखा कायमची बंद करची पडटली.

चॅअरमॅन : जालें किदें तें तरी सांगात. आमच्या ब्रान्चमॅनेजरा कडल्यान किदें

चूक जाली? (चॅअरमॅन मॅनॅजरा कडेन पळयता. मॅनॅजर न्हयकारी मान हालयता.)

सरपंच : सदानंद कांबळीक रीण कोणें दिलें? तुमीच न्हय?

मॅनॅजर : सगळें सोपस्कार पुराय करून दिलां.

सरपंच : सगळे सोपस्कार पुराय करुनूय तुमकां जाय जाल्यार रीण नाकारूं येताले. सादो शेनाय वाजोवपी आयज पांच गोरवांचो धनी जाला. शंबर गोरवांचीं सपनां पळोवपाक लागला आनी मुखेल गजाल म्हणल्यार आमकांच सोंपोवपाची भाशा करपाक लागला. (अवाज चडोवन) फाटीं घेयात ताजें रीण. जप्त करात ताची गोरवां. भिकेक लायात ताका. वाजोवंदी परत शेनाय लग्नांनी. (तोंडांत शेनायेचो आवाज काडटा) पे रें पें पें पें पें रें. सांगात, जातलें तुमच्यान?

चॅअरमॅन : (वेवस्थापकाक) ताका आमी फाटलीं रिणां दिल्यांत ताचो ट्रॅक रिकॉर्ड कसो आसा?

मॅनॅजर : सर, ताचीं तीन रिणां आमचे कडेन आसा. सगळे अकावण्ट रॅग्युलर आसात. केन्नाच ताका पॅनल्टी वा एडिशनल इण्टरेस्ट लागूंक ना. बँकेच्या वर्सुकी दिसा तुमीच ताचो भोवमान केल्लो.

चॅअरमॅन : सरपंच, आमी कांयच करूंक शकनात.

सरपंच : अशें कशें कांयच करपाक शकनात?

चॅअरमॅन : जर आमी ताचीं रिणा फाटीं घेवन ताचीं गोरवां ताब्यांत घेतलीं तर तो पत्रकार परिशदेंत सगलें सांगतलो. आमचे बँकेचें नांव घाण जातलें. कितलेंय केल्यार पंच वांगडी तो.

सरपंच : मागीर एक काम करात. ताका आनीक धा लाख लोन दियात.

चॅअरमॅन : पूण ताचे सगळे येणावळींत आनीक कर्ज बसपाक जाय. कितलेंय केल्यार गोरवां तीं. फाल्यां मेलीं जाल्यार आमी कांयच करपाक शकचे नात. हां! स्थावर मालमत्ता घेता जाल्यार दिवपाक मेळटले.

सरपंच : दियात तर. स्थावर मालमत्तेकच दियात. मालमत्ता हांव तयार करतां. ताची भाटकार जावपाची इत्सा हांव पुराय करतां. (काळोख)

प्रवेश तिसरो

(सगळे गांवकार तिळ्यार खबरो मारीत बसल्यात.)

गांवकार१: आरे! आयकलां? आयज सरपंच आनी सदा एकेच गाडयेंत वाळपय गेल्यात.

गांवकार २: कितेंय सांगूं नाका. सरपंचाचो मुंबयचो भाव वांगडा आसलो.

गांवकार १: तो मदींच सो हांगा? हरशीं तो चवथीक येता न्हय रे?

गांवकार २: आमच्या सदाक समजावपा खातीर व्हरूंक ना मरे? निमणें सत्ते खातीर लोक कितेंय करतात.

गांवकार ३: बेश्टो सदाचेर संशय घेवं नाका हां. कितें तरी मोटें काम आसतलें. गांवाच्या भल्याचें. (इतल्यान आनीक दोगजाण येतात.)

गांवकार ४: आरे पापयांनो! हांगा कितें करतात? आरे आमचो सदानंद भाटकार जालो. सरपंचाच्या बापूलभावाचें भाट आमच्या सदान रीण काडून विकत घेतलें. आतां तो भाटकार.

गांवकार १: खरें सागताय? कितले लाख पडले रे?

गांवकार ४: पुराय धा लाख रुपया.

सगळे : कितें? धा लाख?

गांवकार १: म्हणटकच बँकेक म्हयन्याक कितले भरचे लागतात तर?

गांवकार २: कितलेय पडूं. जमीन बरी ती. कश्ट करीत जाल्यार सदा भांगर पिकयतलो. आतांच म्हयन्याक धा बारा हजारांचो पाडो पडटा. जालो रे बाबा ! जालो आमचो सदा भाटकार जालो.

गांवकार३: भाटकाराचेर कितें सोंपलां. आमचो सदा एक दीस सरपंच जातलो. मागीर आमदार, मागीर मुख्यमंत्री आनी मागीर...

गांवकार १: (ताका मदींच तोडीत) आनी मागीर तुज्या चेडवाचो मांव जातलो. (सगळे हांसतात) आमी बारीक लोक, बारीक सपनां पळोवचेलीं.

गांवकार ३: चूक तुजें. आमकां सदान सांगलां, सपनां सदांच मोटीं पळोवचीं. तो लेगीत मोटीं मोटीं सपनां पळयतालो. देखून आयज ताच्या गाठ्यांत पांच गायो आसात आनी आयज तर तो भाटाचो धनी जाला.

गांवकार ४: पुराय भाटाचो धनी इतल्यानच न्हय. पयलीं बँकेचें रीण फारीक जावपाक जाय. सध्या बँक धनी.

गांवकार २: जातलें. सगळें रीण फारीक जातलें. पळयत रावात. (इतल्यान सदानंद भितर येता. सगळ्यांक पेडे वांट्टा. सगळे हांसत हांसत ताका परबीं भेटयतात. आनीक एक गांवकार येता. सदा ताकाय पेडो दिता.)

गांवकार : कसले रे पेडे सदा? कितें नविदाद? हालीं तुमच्या वाड्यार बरे दीस आयल्यात अशें आयकलां. तुमच्या मनशांच्या आंगार कशें मास चडलां तें पळय. पूण तुवें पेडो कसलो तो सांगलो ना.

सदानंद : तुवें उलोवपाक संद दिल्यार सांगतलों मरे! आयक तर. आयज हांवें सरपंचाच्या बापोलभावाचें भाट विकत घेतलें.

गांवकार : खंयचें? तें तीन आंब्यां कडलें?

सदानंद : हय. हय. तेंच. थोड्या वर्सांनीं तें पंदरा आंब्यां कडलें जातलें.

गांवकार : पंदरा? आसात ते तीन उरल्यार बरें आसा सांज मेरेन.

गांवकार३ : चेडयेच्या! शाप दिता. आमच्या वाड्या वयल्या लोकांचें बरें जाल्लें तुमच्यान पळोवं नजं. (ताच्या आंगार धांवून वता. सदा ताका आडायता.)

सदानंद : तुवें अशें कित्याक म्हळें?

गांवकार : सदा, आमी तुजें बरेमागपीच हां. तुवें जें भाट घेतला तें सकाळच्यान बेंडपाक सुरवात जाल्या. एन्नाधर अर्दें भाट मेकळें केलें आसतलें. फट दिसता जाल्यार धांव मार आनी पळय.

सदानंद : खरें सांगता? पूण म्हजें भाट कातरतलो कोण? कितें तरी गडबड आसा.

गांवकार : आनी कोण?

सदानंद : चलात रे पळोवया कितें जालां तें. (सगळे धांवपाक लागतात. झाडां कातरिल्ल्याचो आवाज, जमनीर पडिल्ल्याचो. लोक हे वटेन ते वटेन बेश्टच धांवतात. पड्ड्य्या फाटल्यांतल्यान, 'सदाचो घात केलो' अशे संवाद आयकूंक येतात.)

सदानंद : (विंगेंत नदर मारून) बंद करात, बंद करात हें. हांव मालक ह्या

भाटाचो. बंद करात ती खरवत. ना जाल्यार एकएकल्याक कापून उडयतां. (भितरल्यान आवाज)

आवाज : हें पळय, हें काम आमकां सरपंचान सांगलां. आनी आयच्या आयज हें काम सोंपोवपाक जाय अशेंय सांगलां. तुका वाद घालपाचो आसल्यार ताचे कडेन घाल. आमकां आमचें काम करूं दी. सरपंच येवपाचो वेळ जाला.

सदानंद : तिमा, आपा, रगल्या धरात तांकां. घालात बांदून. हांव वतां सरपंचागेर. आयज काबारूच करुया सगल्यांक.

सगळे : हय, हय. काबार करुया. (बेवाळ वाडटा. धुमशेणांचो आवाज. सदा आनी हेर धांवत माचयेर येतात. दुसरे वटेंनच्यान सरपंच सुसेगाद येतात. वांगडा पुलीस आसात.)

सदानंद : बरें जालें सरपंच. वाटेरूच मेळ्ळो तूं. म्हज्या भाटान तुवें कितें चलयलां. भाट कापून उडोवपाचो अधिकार तुका कोणें दिलो. तुज्या सामकार तुज्या भावान तें भाट म्हाका विकलां तुका खबर आसा न्हय? म्हजें भाट तुवें बेणलेंच कशें?

सरपंच : जालें उलोवन तुजें? काय आनी कितें उरलां. तुका भाट विकलां मान्य आसा. पूण ताजेर लागवड आसा ती हांवें रोयल्या. हांवें शिंपून वयर काडल्या. म्हज्या भावान न्हय. भावान तुका जमीन विकल्या आनी लागवड म्हजी म्हाका कातरून घे म्हणल्या. राव रे! हरशीं तूं पंचायतीचीं कागदपत्रां बरे तरेन वाचता, मागीर जमनीच्या सेलडिडाचीं कागदपत्रां कित्याक सारकीं वाचलीं ना. पान स, मुद्दो नंबर इकरा वाच. सारकें स्पश्ट बरयलां, हांवें म्हजी लागवड तीनसांज मेरेन कापून घेवपाची. आनी निखटी जमीन तुका परत दिवपाची. (कागदपत्रां सदाचेर शेवटून मारता. इतल्यान सरपंचाचे दोगजाण मनीस धांवून येतात.)

एकलो : सरपंच, भाटान धांव मारात. सदाच्या लोकांनी झाडां तोडपी मानायांक यथेश्ट बडयल्यात. कांय जाणांक बांदून घातल्यात.

सरपंच : चडूच जालें मरे हांचें. घेयात रे तोणके, चलात भाटांत.

सदानंद : आमच्या लोकांक हात लावन पळयात, काबारच करतां. (बोवाळ सुरू. एकामेकाच्या आंगार धांवून वतात. काळोख)

प्रवेश चवथो

(उजवाड जाता तेन्ना गांवकार धगाक बसून गजाली करतात.)

गांवकार१ : घात केलो रे आमच्या सदाचो. पांय घस्टून मरतलो सरपंच.

गांवकार२ : सदान म्हूण कागदपत्रां सारकीं वाचपाचीं न्हय.

गांवकार३ : आरे! सरपंचाचो भाव सज्जन मनीस. ताणें हें करूंक ना. ताका बाबड्याक हें खबर लेगीत नासतलें. सदान ताचेर भावार्थ धाखयलो.

गांवकार४ : ते पेपर बँकेच्या आदवोगादान तयार केल्ले खंय न्हूरे.

गांवकार१ : घट्टण जावं सगळ्यांचें. सदाच्या दोळ्यांनी पयलेच फावट दुकां पळयल्यांत हांवें.

गांवकार २: पुलिसांनी खूब मारलो खंय. सगळ्यांक बडयल्यात. मुखेलमंत्र्याक सांगून आमच्या लोकांचेर कायद्याचीं खूब कलमां लायल्यांत खंय. कोणाचेंच बरें जावचें ना.

गांवकार ३: सदाची बायल म्हूण मोठी धिराची हां. आपल्यो सगळ्यो वस्ती विकून आमच्या लोकांक पुलिशेंतल्यान भायर काडले.

गांवकार ४: तेंच तर सदान मनाक लावन घेतलां. बायलेक उमेदीन केल्ल्यो सगळ्यो वस्तू ना जाल्यो. ते भायर रिणांचें वजें.

गांवकार १: मॅनेजर म्हणटालो खंय, भाटाच्या रिणाचो एक जरी हफ्तो चुकत जाल्यार भाट ताब्यांत घेतले. वयल्यान दर म्हयन्याक एक गोरूं व्हरतले खंय.

गांवकार २: थोडो तरी हफ्तो तो. कितलीं सपनां पळयिल्लीं सदान. पयले दिसा सावन पाडो उडोवपाचो. नाल्ल, सुपारी विकून रीण फारीक करपाचें. आतां कांयच ना ताचे कडेन.

गांवकार ३: आतां सगळें कितें तें देवा कडेन. ताणेंच ताका सांबाळचो आतां. (एके वटेन हे संवाद चालू आसतना माचयेच्या दुस-या तोंकाक सरपंच आरामखुर्चेचेर धोलत आसा. ताचेर बारीक उजवाड चालू दवरचो. गांवक-यांनी संवाद सोंपतकच सरपंचाचेर पुराय उजवाड घालचो.)

सरपंच : (सरपंच पेपर वाचता) अमन गांवचे पंचसदस्य, सदानंद कांबळे

यांना त्यांच्या साथिदारा सह गावामध्ये हाणामारी व दंगल माजविल्या प्रकरणी अटक, प्रत्येकी दहा हजाराच्या जामिनावर सुटका. (बातमी वाचीत आसतनाच सदा येता.) आरे! सदा, शंबर वर्सां आयुश्य तुका. तुजीच बातमी वाचतालों. तुमच्या लोकांची हीच वायट संवंय. रोखडेंच मारपाक धांवप. कितेंच म्हणटात तें सोंसप ना. संस्कार रे बाबा संस्कार. तें सोड, तुका उपदेश करून फायदो कितें. तुमी सुदारपाचे नात. किद्याक आयिल्लो? काय अविश्वास थरावाची नोटीस बी हाडल्या रे?

सदानंद : हांव नोटीस बेसबरी हाडीन, थराव पास जावपाक नाका? हांव एक, तुमचे कडेन सात.

सरपंच : हय मरे! मागीर कितें काम आसलें? आमच्या सोय-यां भितर कोणाचेंच सध्या तरी लग्न ना. पूण फाटीं फुडें जातलेंच. तेन्ना शेनाय वाजोवपाचें काम तुकाच हां.

सदानंद : देव बरें करूं. म्हाका हें राजकारण नाका हें सांगपाक हांव हांगा आयलां. तुमकांच फावता तें. म्हजीं गोरवां आनी हांव ज्युस्त जमता. हांवें थारायलां, पंचसदस्यपदाचो राजिनामो दिवपाचो आनी परत केन्नाच म्हणटात तें राजकारणांत पडप ना.

सरपंच : (उचांबळीत जावन) खरेंच! कितें सांगता रे? इतल्यानूच हार मानली. मागीर केन्ना दिता राजिनामो?

सदानंद : जाय जाल्यार आतांच. पूण तुमी म्हजें एक काम करचें पडटलें.

सरपंच : सांग, कसलें काम? पुलिसांक सांगून तुमच्यो केसी फाटीं घेवपाच्यो मरे? केलें. डिवायएसपीक आतांच फोन लायतां.

सदानंद : तें काम तर आसाच. पूण दुसरें एक काम आसा. हांवें जें भाट घेतिल्लें तें आतां म्हज्या कांयच कामाचें ना. तें भाट तुमी परत घेवचें आनी म्हाका रिणांतल्यान मुक्ती दिवंची.

सरपंच : इतलेंच मरे? जालें. म्हाका लुकसाण आसा हातूंत. पूण तुजे खातीर सोसतां. चल, फाल्यां निबंदक कचेरेंत या. बँकेच्या मनशाक थंयच आफयतां. फाल्यां इकरा मेरेन काम सोंपोवया. दनपार मेरेन पंचायत संचालनालया कडेन तुजो राजिनामो दिवया. चल तूं. सांबाळ तुजीं गोरवां.

(काळोख जाता. सरपंच तेच खुर्चेर बसला. धोलप चालू आसा. सदा चलात चलात माचयेच्या दुस-या तोंकार येता. दोन फोकस दोगांचेर. पड्ड्या फाटल्यान निवेदन चालू जाता.)

निवेदक : शेवटाक सरपंचान डाव सादयलोच. सदानंदाक बचक्याक धरलोच. सदानंद सरपंचा वांगडा ते दिसा जाय थंय मोन्यांनी भोंवलो. ताका जाय थंय सयो मारल्यो. पूण हे फावटीं पेपर पुराय वाचून हां. भाट आसा तशें सरपंचाक परत केले उपरांत सदान मेकळो स्वास घेतलो. बँके कडल्यान नो ड्यू सर्टिफिकेट घेतली तेन्नाच भायर सरलो. आपलो राजिनामो सरपंचा कडेन दिलो आनी म्हणपाक लागलो,

सदानंद : (उबो आसा थंय सावनूच) सरपंच हांव येना थंय. म्हजो राजिनामो तुमीच सुपुर्त करात. म्हाका वायट दिसता. हांव म्हज्या घरा परत वतां. रीण सुटिल्ल्याचें बायलेक सांगतां. राजिनामो दितां म्हूण लोकूय म्हजेर बेजार आसात. तांकांय समजायतां. येतां हांव. हाचे फुडें तुमच्या विरुद्ध एक उतर काडचों ना. म्हाका वाटायले बद्दल देव बरें करूं. (परत फ्रीज. दोगांचेरूय बारीक उजवाड.)

निवेदक : ते दिसा सरपंच सुस्त न्हिदलो. जागो जालो तोच मुळांत एका बोवाळांत. कसलो काय बोवाळ?

सदानंद : वाच सरपंच, बातमी वाच. अमन गांवचो पंचसदस्य, जाणें काल दनपरां पंचायत संचालकाक राजिनामो दिल्लो तोच राजिमानो तिसांजेचो एके नाट्यमय घडणुकेंत परत घेतलो. वाच सरपंच वाच. (फाटल्यान घोशणा. सदानंद कांबळीचा विजय असो.)

—सोंपता—

नांव : अजय ज्यो. बुवा (आप्पा बुवा)

पत्तो : ड/३, रिश्वा रेसीडेन्सी, कला मंदीरा फाटल्यान,
दुर्गाभाट - फोंडे - गोंय. ४०३ ५०६.

प्रकाशित साहित्य : १. एस.एम.एस. (कथा झेलो)
२. प्रस्नाचिन्नां सासणाचीं (एकांकी)
३. बांवरी राधिका (कथा झेलो)
४. म्हज्या कवितांची डायरी (कविता)

पुरस्कार आनी भोवमान :

- भारतीय भाशा परीषद - कलकत्ताचो युवा कथाकार (राष्ट्रीय पांवड्यावेलो) पुरस्कार २०११
- भावनगर - गुजराथ हांगा जाल्या खाशेल्या कार्यावळीत साहित्य अकादमीच्या वतीन कथा सादरीकरणाची खास कार्यावळ.

महारूद्र प्रकाशन